राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद, पर्वरी–गोंय

# शिक्षक मार्गदर्शक (भाग 2)

## बुनयादी शिक्षण अभ्यासक्रम : बालवाटिका - 2 (पिराय गट 4 ते 5)



# शिक्षक मार्गदर्शक

(भाग 2)

**बुनयादी शिक्षण अभ्यासक्रम : बालवाटिका – 2 (पिराय गट 4 ते 5)**

# बुनयादी शिक्षण अभ्यासक्रम : बालवाटिका– 2 (पिराय गट 4 ते 5)

**विकासाचें मळ : शारिरीक विकास (अन्नमय आनी प्राणमय कोश विकास)**
ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.
क्षमता : C-1.1 पोशक आहाराबाबतीत रूची आनी समज दाखयता आनी अन्नपदार्थ फुकट घालनात.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | घटक आहार | अपघटक अन्नपदार्थ | 1. व्हडल्यांच्या मजतीन वेगवेगळे अन्नपदार्थ खाता. (देख– धान्य, भाज्यो, फळां, डाळी, शेंगा, सुकोमेवो, दुधाचे पदार्थ) | 1. भुरग्यांक डब्यातल्यान वेगवेगळे पोशक अन्नपदार्थ दिवपाविशीं पालक प्रबोधन करप.<br>2. डब्यातल्यान हाडिल्ली वेगवेगळीं फळां, धान्य, डाळीचे पदार्थ, सुकोमेवो, भिकणां, दुदाचें पदार्थ व्हडल्यांच्या मदतीन योग्य पद्धतीन खावप.<br>3. डब्यातले अन्नपदार्थ खावचे पयलीं तें निर्माण करपी आनी तयार करपी कृतज्ञता व्यक्त करपी श्लोक वा प्रार्थना म्हणप.<br>4. अन्नपदार्थांची चव, अन्नाचे म्हत्व हें विशीं भुरग्यांकडेन गजाली करप. | अन्नपदार्थ |
| बालवाटिका 2 | आहार | पौशक आनी अपायकारक पदार्थं | 2. दुकानांतले आरोग्या खातीर पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थ स्पश्ट करता. | 1. दुकानातले आरोग्याखातीर पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थ वर्गांत हाडून भुरग्यांक तांचो परिचय करून दिवप. देख– फळां, भाज्यो, डाळी, भिकणां, सुकामेवो, दुदाचे पदार्थ, बिस्कीट, वेफर्स, कुरकुरें, केक, आईस्क्रीम, चॉकलेट.<br>2. दुकानातली आरोग्यास पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थांची चित्रकार्डा तयार करून पोशक पदार्थाक पाचवी पट्टी आनी अपायकारक पदार्थाक तांबडी पट्टी चिकटवप. पट्ट्यो खुर्च्यांचेंर मांडून संगीत खुर्ची, खेळ खेळप.<br>3. आरोग्याक पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थांची चित्रा आनी आकड्यांची मांडणी आशिल्लो, भुरग्याक उबो रावता असो सापशिडीचो कापडी चौकोन तयार करून सापशिडीचो खेळ खेळप.<br>4. वेगवेगळे अन्नपदार्थ वा ताच्यो प्रतिकृती मांडून भुरग्यांक आरोग्याखातीर पोशक अन्नपदार्थ निवडपाक सांगप.<br>5. आरोग्याखातीर पोशक आशिल्ल्या अन्नपदार्थांची गाणी म्हणप. | चित्रकार्डा, खुर्च्यो, सापशिडीचो फलक, गाणी, प्रतिकृती |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | आहार | पोशक अन्नपदार्थ | 3. काय पदार्थ पोशक आसपा फाटलीं कारणां स्पश्ट करता. | 1. पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थांविशीं भुरग्या वांगडां भासाभास करप.<br>2. अन्नपदार्थांची नावां आनी पोश्टीक गुण भुरग्यांक सांगता.<br>3. पोशक आनी अपायकारक अन्नपदार्थांविशीं बोलक्या बावल्यांची भासाभास.<br>4. पोशक पदार्थांची चित्रां हातात धरून भुरग्यांनी ते बद्दल एक-दोन वाक्यां उलोवप. | बोलक्या बावल्यांची चित्रां |
| बालवाटिका 2 | आहार | अन्नपदार्थ निर्मिती | 4. चित्रकृतींच्या मदतीन सोपो नाश्तो तयार करप. | 1. चित्रकृतींच्या मदतीन नाश्तो कसो तयार जाता हाची प्रत्यक्ष म्हायती दिवप.<br>2. चित्रकृतीच्या मदतीन भुरग्यांन मेळ, भिकणांचो लाडू, सँडविच सारकें सोपें पदार्थ तयार करप.<br>3. चित्रकृतीच्या मदतीन नाश्तो कसो तयार करता हाचें विशीं चित्रफित दाखयता. | नाश्ताखातीर लागपी पदार्थ चित्रफीत, चित्रकृती |
| बालवाटिका 2 | आहार | खाण्याची योग्य पद्धत | 5. अन्नपदार्थ सकयल वडय नासतना खावप | 1. अन्नपदार्थ सकयल वडय नासतना खावपा विशीं मार्गदर्शन करप. देखीक- योग्य पद्धतीन तोंडात उणी घालप, खावप. | अन्नपदार्थ |
| ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.<br>क्षमता : C-1.2 स्वतःची मुळावी काळजी आनी स्वच्छता आपणायता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | स्वच्छता | हातांची स्वच्छता | 1. संडासाक वच्चे पयली तशेंच जेवणा पयलीं आनी जेवणा उपरांत हात धूवप, पूसप ह्यो क्रियो स्वता करपाक सुरवात करता. | 1. संडासातल्यान येतकीच साबणान हात नितळ धूवन पूसपाक सांगप.<br>2. जेवणा पयली आनी जेवणा उपरांत भुरग्यांन हात धूवप, पूसप.<br>3. हात स्वच्छ धूवपाचें महत्व भुरग्यांक भासाभासतल्यान सांगप.<br>4. हात नितळ धूवपाची क्रिया सांगपी कृतीयुक्त गीत म्हणप. | साबण, उदक, लेस, गाणे |
| बालवाटिका 2 | बऱ्यो सवयो | कपडे, चप्पला, बूट घालप | 2. मदती शिवाय स्वता कपडे, चप्पल, बूट घालता. | 1. भुरग्यांक हेरांच्या मदती शिवाय कपडे घालपाक, बटणा लावपाक सांगप.<br>2. हेरांच्या मदती शिवाय स्वता चप्पल, बूट घालपाचो सराव करून घेवप. | चप्पल, बूट, कपडे |
| बालवाटिका 2 | बऱ्यो सवयो | स्वताच्या वस्तूंचो वापर करप | 3. स्वता जावन वैयक्तीक वापराच्या वस्तूंचो योग्य वापर करता. | 1. फणी, टूथब्रश, टूथपेस्ट, साबण, तेल, पावडर, आरसो आनी हेर गरजेच्या वस्तूंचो वापर कसो करचो हें विशीं मार्गदर्शन करप. चित्रफीत दाखोवप आनी भुरग्यांक त्यो वस्तू वापरपाचो सराव करप.<br>2. वस्तूंच्या वापराविशीं कृतीयुक्त गाणी म्हणप. | फणी, टूथब्रश, टूथपेस्ट, साबण, तेल, हारसो, गाणे |

ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.
क्षमता : C-1.2 शाळा आनी वर्ग नितळ दवरता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | बऱ्यो सवयो | शिस्त साहित्याची जतनाय | 1. स्वताच्यो वस्तू योग्य जाग्यार दवरता आनी जाग्या वयल्यान घेता. | 1. दिसपट्टे वापराच्यो वस्तू योग्य जागे वयल्यान घेवप आनी वापरून जातकच त्यो योग्य जागेर दवरपा विशी मार्गदर्शन करप.<br>2. भुरग्यांनी आपलो डबो शाळेची बॅग, ताटली, पेलो, क्रिडासाहित्य हेंर वस्तू जाग्यार दवरप आनी परत योग्य जाग्यार दवरप. | डबो, शाळेची बॅग, ताटल्यो, पेले, क्रिडासाहित्य |
| बालवाटिका 2 | बऱ्यो सवयो | स्वताची कामा स्वता करप | 2. स्वच्छ पेले, ताटल्यो वळखता आनी वापरता. तशेंच स्वतंत्रपणान बुरशीं ताटल्यो आनी आयदानां जाग्यार दवरता. | 1. भुरग्यांक नितळ ताटल्यो, आयदनां, पेले, वाट्यो वापरपाक सांगप.<br>2. आयदना दाखोवन नितळ आनी बुरशें हातूंतलो फरक वळखपाक सांगप.<br>3. जेवले उपरांत वा डबो खाल्ले उपरांत उश्टे योग्य आयदनांत वडोवप.<br>4. उश्टीं आयदनां धुवपाच्या जाग्यार दवरप. | डबो, ताटल्यो, पेले, वाट्यो, उश्टे उडोवपाचें आयदन |
| बालवाटिका 2 | नितळसाण | कोयरा पेट्येचो वापर | 3. कोयर वडोवपाक कोयरापेट्येचो वापर करपाक सुरवात करता. | 1. भुरग्यांचे लक्ष ओडून घेतले असो आकार, रंग, चित्र आशिल्ल्यो कोयरापेटयो दवरप.<br>2. कोयरापेटयेत फळांची सालो, कागदाचें कुडके, हेर वस्तू कशें वडोवप ते दाखोवप.<br>3. भुरग्यांक कोयरा पेटयेंत कोयर वडोवपाची सवय लावप.<br>4. कोयर आनी नितळसाणे बाबतींत संवाद.<br>5. कोयरापेटयेंत कोयर वडोवपाची सुचोवणी तशेंच नितळसाणेचो संदेश दिवपी फलक लावप.<br>6. स्वच्छते संबंदी घोशणां दिवप.<br>7. नितळसाणेचो संदेश दिवपी गीत म्हणप. | कोयरापेटी, बोलक्यो बावल्यो, फलक, घोशणां गीत. |

ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.
क्षमता : C-1.4 वस्तू आनी सोप्या साधनांचो सुरक्षीतपणान वापर करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सुरक्षीतता | साहित्य हाताळप | 1. कातर, सुरी, फस्क अशें धोकादायक आनी हानीकारक वस्तू जतनायेंन हाताळटा. | 1. भुरग्यांनी कातरी, सुरी, फस्क ह्या सारक्यो वस्तूं जतनायेन आनी योग्य पद्धतीन कश्यो वापरच्यो हे समजावन सांगप.<br>2. धोको आशिल्ल्यो वस्तू जतनायेन आनी योग्य पद्धतीन वापरल्यार तांचो परिणामविशीं चित्रफीत भुरग्यांक दाखोवप. | कातर, सुरी, फस्क, नेलकटर |

| ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.<br>क्षमता : C-1.5 हालचालींत सहजता दाखयता आनी योग्य रितीन वागता. (चलप, धावप, सायकल चलोवप) | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | सुरक्षीतता | रस्तो सुरक्षीतता | 1. रस्तो हुपतना दोनय बाजूक पळयता, वांगडाच्या भुरग्यांचे आनी भुरग्याचे हात धरून चलता. | 1. रस्त्यावेल्यान चलपाविशीं नियमांविशीं चित्रफीत दाखयता.<br>2. रस्त्यान चलपा विशींचे नेम योग्य पद्धत वा सुरक्षीतता हें विशीं भुरग्यांकडेन भासाभास करप.<br>3. मैदानाचेर ओळीन रस्तो हुंपप, दोनीय वटेन पळोवन, व्हडल्याचें हात धरून कशें चलप हांचे प्रात्यक्षीक घेवप.<br>4. भुरग्यांक झेब्रा क्रॉसिंगाचे चित्र दाखोवन माहिती दिवप. | चित्रफीत, जेब्रा क्रॉसिंगाचे चित्र |
| ध्येय : CG-1 भुरगीं निरोगी आनी सुरक्षीत दवरपी सवयो विकसीत करतात.<br>क्षमता : C-1.6 असुरक्षीत, धोकादायक परिस्थीती समजून घेवन मजत मागता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | सुरक्षीतता | स्व-सुरक्षा | 1. परिचीत आनी विस्वासू जाणट्यांनी खबर घेतल्यार दिसपी अस्वस्थता उक्तायता. | 1. शिक्षक आनी भुरग्यांनी भुरग्यांकडेन मोगाचे आनी विस्वासाचे नातें निर्माण करून मन मोकळे करपाची संदी दिवप.<br>2. आपले मनातली अस्वस्थता, शाळेंतली शिक्षिका वा घरांतले पालक आनी जाणटे हांचे कडेन व्यक्त करपा संबंदी मार्गदर्शन करप.<br>3. आपली अस्वस्थता मनांत दाबून दवरी नासतना ती परिचीत मनशांकडेन व्यक्त करपाक प्रोत्साहन दिवप.<br>4. आपले मनातली अस्वस्थता, मनातल्यो भावना अनोळखी व्यक्तीलागी उक्तायल्यार कितें परिणाम जावं शकतात हें संबंदान चित्रफीत दाखोवन तें विशीं भुरग्यांकडेन संभाशण करप.<br>5. अपरिचीत मनशां कडेन आपले मनांतली भावना उक्तायल्यान निर्माण जावपी धोक्यांविशीं काणी सांगप. | चित्रफीत, काणी |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सुरक्षीतता | स्व-सुरक्षा | 2. अपरिचीत मनशांकडल्यान खेळणी, चॉकलेट, पयशें आनी हेर वस्तू घेनात. | 1. अपरिचीत मनशांकडल्यान खेळणी, चॉकलेट, पयशें आनी हेंर वस्तू न स्वीकारण्याबाबतीत भुरग्यांक मार्गदर्शन करप.<br>2. अपरिचीत व्यक्तींकडल्यान वस्तू घेतल्यार निर्माण जावपी धोक्यांबाबतीत चित्रफीत दाखोवन तें विशीं भुरग्यांकडेन भासाभास करप.<br>3. पालकां वांगडा न येवपी आनी वाहनांतल्यान प्रवास करपी भुरग्यांक उलोवपाक लावन गजालींतल्यान अणभव जाणून घेवप.<br>4. शाळेंत येतना व वतना पालक वांगडा नासतात आनी गाडयेतल्यान प्रवास करपी भुरग्यांनी जाणट्या लागीं आनी अपरिचीत खंयची काळजी घेवची हें सबंदी भुरग्यांक मार्गदर्शन करप. | |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.1 आकार, रंग आनी तांच्यो छटा हांचे मदलो फरक वळखता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | रंग | 1. मूळ प्राथमीक दुय्यम रंगांमदल्यो छटा हातूंतलो फरक वळखता. (देख- फिकट निळो, गडद निळो, फिकट पांचवो, गडद पाचवो) | 1. मूळ प्राथमीक रंग आनी द्वितीय रंग दाखोवन तांची नांवा सांगून तातूंतलो फरक स्पश्ट करता.<br>2. प्राथमीक आनी द्वितीय रंगांच्या चित्रपट्ट्यामदल्यान सांगिल्ल्या रंगांची चित्रपट्टी सोदप.<br>3. दोन प्राथमीक रंगांच्या मिश्रणातल्यान खंयचो दूसरो रंग तयार जातलो हें प्रत्यक्षपणान दाखोवप.<br>4. प्राथमिक आनी द्वितीय रंगांतल्यान धवो रंग आनी उदकाचें प्रमाण कमी-चड करून रंगांच्यो फिकट आनी हेर छटा करून दाखोवप.<br>5. फिकट आनी गडद रंगांची चित्रा आनी वस्तू दाखोवन रंगांदमलो फरक वळखपाक सांगप. | रंग, उदक, चित्रपट्ट्यो, वेगवेगळ्यो वस्तू |
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | आकार | 2. लांबी, रूंदी, उंचाय हें आदाराचेंर वस्तूंचे गट करता. | 1. विविध आकारांच्यो वस्तू दाखवून त्या आकारांचो परिचय करून दिवप.<br>2. वेगवेगळ्या आकारांच्या वस्तू दाखोवन ते आकारातलो फरक वळखपाक सांगप.<br>3. दिल्ल्या वस्तूंचे आकाराच्या आदारान वर्गीकरण करून समान आकाराच्यो वस्तू वेगवेगळ्या पात्रांत दवरप.<br>4. वेगवेगळ्यो आकारांचो संदर्भ आशिल्ली काणी सांगप. | वेगवेगळ्यो आकाराच्यो वस्तू, पात्रां, काणी |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.2 चित्रां आनी प्रतिका हाचेंखातीर दृक्स्मृती (visual memory) विकसीत करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | दृक्स्मृती | 1. समान रचना, पूण भिन्न आकार आनी दिशां आशिल्ली चिन्हा, प्रतिका जोडटा.<br>देखा- X <---------> +<br>∞ <---------> 8 | 1. कृतिपुस्तिकेत समान रचना वेगवेगळे आकार आनी दिशा आशिल्ली जोडयो जुळोवपाक सांगप.<br>देखा- S <---------> ᔕ<br>∧ <---------> ∨ | कृतिपुस्तिका |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.3 आवाजातलो चढ-उतार सूर-ताल-लय हाचेंनुसार फरक वळखता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | आवाजातलो चढ-उतार | 1. पक्षी, प्राणी, वाद्या, मानवी आवाज हांचो आवाजाच्या पातळे मदलो चढ-उतारातलो फरक वळखता. | 1. मोबायला वयल्यान कावळो, चिमणी, पोपट, मोर, कोगूळ, कुत्रो, मांजर, गाय, म्हस ह्या सारकें पक्ष्यांचे आनी प्राण्यांचे आवाज आयकूवप आनी नक्कल करपाक सांगप.<br>2. घुमट, तबला, ढोलक, संवादिनी, बासरी, टाळ, खंजीर हे सारकें वाघांच्या आवाजाची भुरग्यांक वळख करून दिवप.<br>3. रस्तावेल्यान वचपी वस्तू विकप्याचें आवाज आयकप.<br>4. वेशभूशा करून भुरग्यांनी वेगवेगळ्यो वस्तू विक्रेत्यांच्यो भूमिका सादर करप.<br>5. गाण्यांच्या आनी घोशणांच्या माध्यमातल्यान आवाजातली चढ-उताराची वळख करून दिवप. | मोबायल, प्राण्यांचे, पक्ष्यांचे आवाज विविध वाद्या, गाणी, घोशणा |
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | वादन ठेको, लय | 2. तालबद्ध ठेक्यातली मंद, वेगवान लय हांचे मदीं फरक करता. | 1. मात्रा, लय बदल करून टाळ्या वाजोवप, भुरग्यांक अनुकरण करपाक सांगप.<br>2. संथ, मध्य, द्रुत लयीत तालवाद्या वाजवून दाखोवप.<br>3. एकच गीत वेगवेगळ्या लयीत म्हणप.<br>4. तालवाद्यांच्या लयी प्रमाण चलपाच्या वेगात बदल करप.<br>5. गाणे म्हणतना ते लयीत टाळ्यो वाजोवप.<br>6. वाद्यांचो ठेको धरून बडबडगीत म्हणप.<br>7. वाद्या वाजोवन भुरग्यांक मुक्त शारिरीक हालचाल करपाची संदी दिवप. | गीत, टाळ, झांज, ढोलक |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.4 वेगवेगळे गंध आनी चव हातूंतलो फरक वळखता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | गंध वळखप | 1. फूल, अत्तर, खाद्यपदार्थ हांच्या सुगंधामदलो फरक वळखता. | 1. वेगवेगळी फुलां, फलां, पानां पांचो सुगंध आनी सुगंधामदलो फरक हांची प्रत्यक्ष जाणीव करून दिता.<br>2. वेगवेगळ्या अत्तरांचो सुगंधाचो अणभव दिवप.<br>3. दिसप हे जीणेतल्या खाद्यपदार्थांचो गंधाचो आनी ताच्या वेगळेपणाचो अणभव दिवप.<br>4. दोळ्यांक तुवालो बांदून वासावेल्यान वस्तू वळखवपाचो खेळ घेवप. | फळां, फुलां, पानां, अत्तर, खाद्यपदार्थ, रुमाल. |
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | चव | 1. वेगवेगळ्या प्रकाराच्या खाद्यपदार्थांची चव आनी पोत हाचो अणभव दिवप. | 1. वेगवेगळ्या खाद्यपदार्थांची नांवा सांगून तांच्या चवीचो अणभव घेवप.<br>2. वेगवेगळ्या खाद्यपदार्थांक हातान स्पर्श करपाची संद दिवप.<br>3. खाद्यपदार्थ आनी ताची चव हाचेंर आदारीत बोलक्या बावल्यांचो संवाद.<br>4. खाद्यपदार्थांची चित्रां हातात धरून एक-दोन वाक्यां सयत भूमिका सादर करप. | वेगवेगळे खाद्यपदार्थ, बोलक्यो बावल्यो, चित्रां |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.5 वेगवेगळ्या प्रकाराच्या स्पर्शांमदल्या फरक वळखोवपाची क्षमता विकसीत करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ज्ञानेंद्रिया विकास | स्पर्शांची वळख | 1. दोन वस्तूमदल्या कठीण, कडक, मोव, थंड, गरम, खरखरीत, खडबडीत, गुळगुळीत. | 1. भुरग्यांन वेगवेगळ्या प्रकाराच्या वस्तूंचो अणभव दिवप.<br>2. भुरग्यांन स्पर्शांतलो फरक समजावप.<br>3. वेगवेगळ्या स्पर्शांचो अणभव दितना वापरिल्या उतरांचो सराव करप.<br>4. भुरग्यांनी खबर आशिल्ल्या वेगवेगळ्या स्पर्शांच्या वस्तूच्यो देखी सांगप.<br>5. वस्तू आनी स्पर्श हाचेंर आदारीत गीत म्हणप. | फातर, कापूस, झेल, दूद, सॅडपेपर, चिरो, गाणे |

ध्येय : CG-2 भुरगीं ज्ञानेंद्रियांची कुशाग्रता विकसीत करतात.
क्षमता : C-2.6 अणभवांची सर्वंकष जाणीव जावपा खातीर ज्ञानेंद्रिया वतीन संवेदनांचे एकात्मिकरण करपाक सुरवात करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | योग | श्वसनाचे व्यायाम | 1. ल्हव वस्तू नेटांन फूंक मारून उडयता. | 1. ल्हव वस्तू नेटान फूंक मारून वडोवपाची कृती करून दाखोवप.<br>2. भुरग्यांनी शिक्षकांच्या कृतींचे निरीक्षण करून स्वता फूंक मारून वस्तू उडयता.<br>3. स्ट्रॉन उदकात बुडबुडे निर्माण करता.<br>4. स्ट्रॉ आनी श्वासाच्या मदतीन एका आयदनातले वाटाणे दुसऱ्या आयदनात वडोवप.<br>5. मुरलीत फूंक मारून ध्वनी निर्माण करप. | फुगे, कागदाचे तुकडे, कापूस, स्ट्रॉ, उदक, वाटाणे, मुरली |
| बालवाटिका 2 | योग | श्वसनाचे व्यायाम, आसनां | 1. थोड्या वेळाखातीर स्थीर बसता वा शवासन करता. | 1. भुरग्यांक मांडी घालून स्थीर आनी शांत बसपाची कृती करून दाखयता.<br>2. भुरग्यांनी थोड्या वेळार मांडी घालून स्थीर, शांत बसप.<br>3. मांडी घालून ध्यान मुद्रे सयत ओंकार, प्रार्थना आनी श्लोक म्हणप.<br>4. भुरग्यांन श्वसनाचे प्रात्यक्षीक करून दाखोवप. भुरग्यांनी निरीक्षण करून शिक्षकांच्या कृतीचे अनुकरण करप.<br>5. शवासन चालू आसतना मोबायलाचेर बासरीची धून आयकोवप. | आसन, प्रार्थना, श्लोक, मोबायल, बासरीची धून. |

ध्येय : CG-3 : भुरगीं सुदृढ आनी लवचीक शरीर विकसीत करातात.
क्षमता : C-3.1 विशिस्ट कृती करतना ज्ञानेंद्रियांच्या संवेदना आनी शारिरीक हालचाली हांचो समन्वय दाखयता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | स्थूल स्नायू विकास, झेलप, उडोवप | 1. बॉल धरता, उडयता आनी लाथ मारून बॉल मारता. ह्यो कृत्यो जोर लावन करपाक शकता. | 1. बॉल दोनय हातांन धरप.<br>2. एका जाग्यार उबो रावन बॉल उडोवप, धरप.<br>3. दोनय हातांन बॉल उडोवप.<br>4. रिंग धरप.<br>5. वर्तुळात बॉल उडोवप.<br>6. वणटीचेर बॉल उडोवप.<br>7. व्हडलें आकाराचो बॉल पायान धूकलप.<br>8. बॉल पायान आडावप. | बॉल, रिंग |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | स्थूल स्नायू विकास, झेलप, उडोवप | 2. बॉल अचूक सांगला थंय मारता. | 1. डब्यांचो वा प्लास्टीक मनोरो बॉल धरून सकयल उडोवप.<br>2. दिल्ल्या अंतराचेर बॉल उडोवप. | डबे, प्लास्टिक, पेलो, बादली, बॉल |

| ध्येय : CG-3 : भुरगीं सुदृढ आनी लवचीक शरीर विकसीत करातात.<br>क्षमता : C-3.2 वेगवेगळ्या शारिरीक कृतींतल्यान तोल, समन्वय, लवचिकता दाखयता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | तोल | 1. एका पायाचेंर आदार बगर रावपाक शकता. | 1. शिक्षकांन भुरग्यांक आदारा बगर चड वेळाखातीर एका पायाचेर उबे रावपाचें प्रात्यक्षीक करून दाखवप.<br>2. भुरग्यांन जास्त वेळाखातीर ध्रुवासन करून दाखोवप.<br>3. विटेचेंर, लाकडी तुकड्याचेंर एका पायार उबें रावप.<br>4. ध्रुवासनाचे चित्र आनी चित्रफीत दाखोवप. | विटो, लाकडाचो कुडको, चित्र, चित्रफीत |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | तोल | 2. 4-5 पावला एका पायाचेंर उडयो मारता. | 1. शिक्षकान लंगडी घालपाचे प्रात्यक्षीक करून दाखोवप.<br>2. भुरग्यांन लंगडी घालप.<br>3. लंगडीचो खेळ खेळप.<br>4. लंगडी खेळाची चित्रफीत दाखोवप. | चित्रफीत |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | तोल | 3. वेगवेगळ्या वस्तूचेंर संतुलन साधपाक शकता. | 1. शिक्षक वेगवेगळ्या वस्तूंचेर उबो रावन चलपाचें प्रात्यक्षीक दाखयता. देख- चुनो लावन रेशेंचेंर चलप, विटाचेंर चलप. | ग्लास, उदक, विटो, निसण |

ध्येय : CG-3 : भुरगीं सुदृढ आनी लवचीक शरीर विकसीत करातात.
क्षमता : C-3.3 हातान कृती करतना हात आनी बोटां हांच्या हालचालीमदीं अचूकता आनी नियंत्रण दाखयता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | सूक्ष्म स्नायू विकास, हस्तनेत्र समन्वय | 1. कृती करतना सूक्ष्म स्नायूंचो वापर करता. हस्तनेत्र समन्वय कांय प्रमाणात अचूकता लागता तेन्ना स्नायूंचेर नियंत्रण दाखयता. | 1. कागदाचे मोठे आकार कापणे.<br>2. सरळ वळ आनी वाकडी वळ कापप.<br>3. कागदाचे घडिकाम करून कपाट, विमान, होडी ह्यो वस्तू तयार करता.<br>4. रंगीत कागदाचे चिकटकाम.<br>5. क्रेयनचो वापर करून चित्रां काडप.<br>6. ठसेकाम करप.<br>7. शिवणपाटी वापरप.<br>8. मातयेचे आकार करप.<br>9. ठोकळ्यांचे आकार करप.<br>10. मनोरा रचप.<br>11. पेल्यान वा ग्लासान बाटलीत पाणी भरप.<br>12. धान्य वेंचप.<br>13. सांगो सोलून दाणे काडप.<br>14. उकडलेले बटाट, केळी, मोव, पेरां कापप.<br>15. पीठ, धान्य चाळप.<br>16. उदक गाळप.<br>17. भिकणां, बिटो बारीक करप.<br>18. बाटलेचे झाकण लावप.<br>19. लाकडी फळयेंर स्क्रू बसोवप.<br>20. जेवताना खातना हाताचो, चमच्याचो योग्य वापर करप.<br>21. बटण लावप.<br>22. दोरयेंन मणी गूंथप.<br>23. फुलांची माळ गूंथप.<br>24. वळखपाक येतात अशीं अक्षरां अंक काडप.<br>25. बरोवपाखातीर आनी चित्र काडपा खातीर एका हाताचो वापर करप.<br>(वयल्यो सगळ्यो कृती करून दाखोवप आनी भुरग्यांनी निरीक्षण करून प्रत्यक्ष करप.) | कागद, कातर, रंगीत कागदाचे कुडके, क्रेयॉन, भेंणो, कांदो, बटाट, रंग, शिवणपाटी, माती, ठोकळे, पेलो, ग्लास, बाटली, धान्य, सांगो, केळी, पेर, पीठ, बाटली, झाकण, लाकडी फळी, चमचो, मणी, फूल, दोरीं, कागद |

ध्येय : CG-3 : भुरगीं सुदृढ आनी लवचीक शरीर विकसीत करातात.
क्षमता : C-3.4 एखादी वस्त उचलून व्हरतना, चलतना, धावतना चिकाटी दाखयता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | चलप | 1. सरळ, नागमोडी, वाकडे रेशेंचेर सरळ चलता. | 1. चुनो, खोडू वा दोरी वापरून सरळ नागमोडी वा वांकडी वळ काडून शिक्षकांन चलून दाखोवप. भुरग्यांनी निरिक्षण करून चलून दाखोवप. | चुनो, खोडू, दोरी, वेगवेगळ्यो वस्तू. |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | तोल सांभाळून चलप | 2. 6 इंच रुंदीच्या फळ्येवेल्यान तोल सांभाळून चलप. | 1. शिक्षकांन भुरग्यांक 6 इंच रुंदीच्या फळयेवेल्यान तोल सांबाळून चलपाचें प्रात्यक्षीक दाखोवप.<br>2. भुरग्यांनी 6 इंच रुंदीच्या फळयेवेल्यान चलप. | ६ इंच रुंदीची फळी |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | स्नायूंची ताकद | 3. एका वेळार एकाच पायाचो वापर करून सोपणावेल्यान चड-देवं करता. | 1. शिक्षकांन विद्यार्थ्याक सोंपणावेल्यान, स्टेजीच्या पायऱ्यावेल्यान एका पायान चड-देंवप करपाचें प्रात्यक्षीक दाखोवप.<br>2. भुरग्यांनी शिक्षकांप्रमाण चलपाची कृती करप. | सोपणा, स्टेजीच्यो पायऱ्यो |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | दूडदूडप | 4. बोगद्यात अरूंद जाग्यार दूडदूडपाक शकता. | 1. अरूंद जाग्यार दूडदूडपाची चित्रफीत दाखोवप.<br>2. भुरग्यांनी रिकामे पिंप, टायर हातूंत भितरल्यान वचप.<br>3. एका भुरग्याक ओणवो करप. भुरग्यांनी तांचे सकयल्यान रांगत वचप. | पिंप, टायर, मोठो खोको |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | उडी मारप | 5. दोनीय पायान उडी मारता आनी एखाद्या कमी उंचायेच्या वस्तूवेल्यान मदत घेवन वा मदत घेनासतना उडी मारता. | 1. एका गोलांतल्यान दुसरे गोलात दोनय पायांन उडी मारप.<br>2. कमी उंचायेच्या वस्तूवेल्यान आदार घेवन वा आदार घे नासतना उडी मारप. | लाकडी पेटी, स्टूल, खुर्ची, टायर |
| बालवाटिका 2 | कारक कुशलता | स्नायूंची ताकद | 6. शक्तीन एखादे काम करपाची तयारी दाखयता. | 1. फुलझाडाची छोटी कुंडी उखलून व्हरप.<br>2. उदकाची बादली उखलून व्हरप.<br>3. धाकले टेबल धूकलप.<br>4. सामानान भरिल्ली धाकली पेटी धूकलप.<br>5. पुस्तकांचो गठ्ठो टेबलाचेर दवरप.<br>6. टायर धूकलप. | कुंडी, बादली, टेबल, पेटी, पुस्तकांचो गठ्ठो, टायर. |

**विकासक्षेत्र : सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)**
ध्येय : CG-4 भुरगीं भावनीक बुद्धिमत्ता विकसीत करतात.
क्षमता : C-4.1 घराबो आनी समाजाचो एक घटक हे नात्यान स्वतंत्र व्यक्ती म्हणून स्वताक वळखपाक सुरवात करता.

| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | 'स्व'ची वळख | 1. स्वताक घराबो, शेजारी, शाळा आनी शार हांचो एक घटक म्हणून वळखता. जय वेगवेगळ्यो व्यक्ती, वेगवेगळ्यो भूमिका मांडतात.<br>2. स्वताच्या वळखी बाबत हेंर म्हायती दिता, तशें पालकांचे नांव. | 1. कुटुंबातल्या व्यक्तींची नांवा आनी आपले तांचे कडेन आशिल्ले नाते सांगप.<br>2. कुटुंबातल्या व्यक्तींची म्हत्वाची माहिती दिवप.<br>3. कुटुंबांचो फोटो हाडून, म्हायती दिवप.<br>4. आपलो पत्तो सांगप.<br>5. भासाभास करतना शेजाऱ्यां बाबतीत उलोवप.<br>6. शाळेची म्हायती आनी म्हत्वाची म्हायती सांगप.<br>7. चित्रां दाखोवन समाजातल्या वेगवेगळ्या मदत करपी लोकांची वळख करप. | घराब्याचें चित्र, मदत करप्याची चित्रां |

ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैचीक विकास (मनोमय कोश विकास)
क्षमता : C-4.2 वेगवेगळ्यो भावना वळखता. ताचेर नियंत्रण हाडपाक यत्न करता.

| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | भावनांचो विकास | भावनांची वळख | 1. भावनां, तोंडावेले हावभाव आनी उतरां हांची सांगड. | 1. आनंद, राग, दुख्ख, प्रेम, भंय, हें चित्रफीत दाखोवप आनी तातूंतल्या वेगवेगळ्या भावनां विशीं भासाभास करप.<br>2. वेगवेगळ्या भावनांची चित्रकार्डा दाखोवन भुरग्याक भावना वळखपाक सांगप.<br>3. भुरग्याक वेगवेगळी चित्रकार्डा दाखोवप. भुरग्यांनी हातांतली चित्राकार्डा पळोवन तशेंच चित्रकार्डा कोणाकडेन आसा हांचे निरीक्षण करून जोडी तयार करप. | चित्रफीत, चित्रकार्ड |
| बालवाटिका 2 | भावनांचो विकास | भावनांची वळख आनी अभिव्यक्ती | 2. भावनांचो शाब्दीक उतरांच्या माध्यमातल्यान हावभाव आनी हेंर प्रकारान व्यक्त करता. चित्र–रेखाटन/ देहबोली. | 1. आनंद, राग, दुख्ख, प्रेम, भंय ह्यो भावना दाखोवपी चित्रकार्ड जमनीचेर मांडप. भुरग्यांन आपल्या आवडीचे चित्रकार्ड उखलून ते भावपनेची कृती आनी अभिनय करून दाखोवप. म्हाका खावपाक दी' हे एकच वाक्य प्रेम, दुख्ख, भीती ह्यो भावना दाखोवपी कृती आनी अभिनयातल्यान वेगवेगळ्या प्रकारान कशें म्हणपाक येता हे शिक्षकान स्वता दाखोवप आनी भुरग्यांक म्हणपाक सांगप. | चित्रकार्डा |

ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)
क्षमता : C-4.3 हेर भुरगें आनी जाणटी हांचे कडेन सहज संवाद करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | भुरगीं आनी जाणट्यांची वळख | 1. घराब्यांतल्या लागीच्या ठरावीक सदस्यांक वळखता, नांवा सांगता. | 1. घराब्यातल्या व्यक्तीचो परिचय करून दिवपी बोलक्या बावल्यांचो संवाद आयकप.<br>2. गजालीच्या माध्यमातल्यान भुरग्यांनी घराबांतल्या व्यक्तीचो परिचय करून दिवप. | बोलक्यो बावल्यो |
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | भुरगीं आनी जाणट्यांची वळख | 2. परिचीत व्हडल्या मनशां कडेन संवाद करता. | 1. बालवाटिकेतल्या चलो-चली जाणट्या मनशांकडेन संवाद करपी प्रसंगांची चित्रफीत दाखोवप.<br>2. शिशुवाटिकेत दुसऱ्या वर्गांत शिकपी शिक्षिके कडेन भुरग्यांक गजाली करपाची संद दिवप. | चित्रफीत |
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | इश्टागत भाव सहकार्य | 3. वळखीच्या भुरग्यां वांगडा सहजपणान, उत्स्फूर्तपणान, खेळांत सहभागी जाता. गरजे नुसार व्हडल्याच्या मदतीन खेळपी भुरग्यांच्या गटात वांटो घेता. | 1. वळखीच्या भुरग्यां वांगडा सहज खेळपाक येतले अशें खेळ आयोजीत करप. देख- मातीकाम, ठसेकाम, रंगकाम.<br>2. भुरग्यांचे गटांत खेळ घेवप. देख- रेवेंत किल्लो तयार करप, भातुकलीचो खेळ. | ओलीमाती, भेंणो, काकडी, बटाटे, कागद, रंग, रेंव, नृत्य, भातुकलीचें साहित्य |

ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)
क्षमता : C-4.4 हेर भुरग्यां वांगडां सहकाऱ्याच्या वृत्तीन वागता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | सहकार्य | 1. हेर भुरग्यां वांगडां खेळताना आनंद घेता. | 1. बागेत ल्हिपचेल्यांनी खेळता.<br>2. दोन गटात दोरी ओडपाचो खेळ खेळप.<br>3. एका भुरग्यांचो उजवो आनी दुसरो डावो पाय लेसान बांधून धावपाचो खेळ खेळप.<br>4. जोडीदाराचो हात धरून धावपाचो खेळ खेळप.<br>5. संगीताची धून वाजयता आसतना मुक्त नृत्यात वाटेकारी जाता.<br>6. समूहगीत म्हणप, | दोरी, लेस, संगीत, समूहगीत. |

| ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)<br>क्षमता : C-4.5 शाळेंत आनी वर्गांत सामाजीक नियम समजून घेवन तें प्रमाण सकारात्मक वर्तन करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | सहकार्य | 1. हेर भुरग्यां वांगडां दिसपट्टे कृतीत आनंद घेता. | 1. वर्गांची नितळसाण करप.<br>2. बागेत पडिल्ली पानां एकठाय करून एका कोनश्यांक दवरप.<br>3. प्रार्थना सत्र, खेळ, नृत्य, गीतगायन हातूंत वांटेकार जावप. | पानां, प्रार्थना सत्र, खेळ, नृत्य, गीतगायन |
| बालवाटिका 2 | नैतिक विकास | शिस्त पाळप | 2. आपली वाट येवपाची वाट पळयता. | 1. प्रार्थना सत्रात रांगेत नीट बसप.<br>2. जेवणा पयली आनी उपरान्त हात आनी तोंड धुवपाखातीर रांगेत उबे रावप.<br>3. खंयच्याय उपक्रमात वांटेकार जातना आपलो वेळ येता म्हणसर वाट पळोवपाची भुरग्यांक सवय लावप. | प्रार्थना सत्र उपक्रम |
| बालवाटिका 2 | नैतिक विकास | सूचनांचे पालन करप | 3. ल्हान सूचनांचे पालन करता. | 1. 'शिवाजी म्हणटा' हो खेळ खेळप. शिवाजी म्हणटा सकयल बस शिवाजी म्हणटा टाळी वाजय हे तरेंन सांगिल्ली कृती भुरग्यांन करप. हेर कोणाचेंय नांव घेवन तो करता म्हणल्यार ती कृती करप ना.<br>2. ठसेकाम, घडीकाम, रंगकाम हे सारक्यो कृती करतना शिक्षकेचे सूचनांचे पालन करप. | खेळ, ठसेकाम, घडीकाम, रंगकाम |

| ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)<br>क्षमता : C-4.6 गरजेच्या वेळार हेर (प्राणी आनी वनस्पतीसयत) मदत करता, दयाभाव दाखयता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | दयाभाव | 1. हेर भुरगीं आनी जाणट्यो प्रती आपुलकी दाखयता. | 1. आवय-बापूय आनी हेंर जाणट्याविशीं आपुलकी दाखोवपी गजाली सांगता.<br>2. इश्ट-इश्टिणी वा व्हडल्यालागीं कशें वागप हें विशीं बोलक्या बावल्यांचो संवाद.<br>3. घरां आयिल्ल्या सोयऱ्याकडेन कशें वागप हें विशी गजाली करता.<br>4. झाडांची काळजी कशीं घेवप हें विशयाचेर चित्रफीत दाखोवप.<br>5. घरांतल्या सवण्या खातीर उदक दवरप, कुंडेतल्या झाडांक उदक घालप.<br>6. जनावरां सवणीं, आनी वनस्पती हांचो वेलो मोग आनी दयाभाव उक्तावपी गाणी म्हणप.<br>7. आवयचेर मोग व्यक्त करपी कविता म्हणप. | काणी, बोलक्यो बावल्यो, चित्रफीत, गाणी, कविता |

ध्येय : CG-4 सामाजीक, भावनीक आनी नैतीक विकास (मनोमय कोश विकास)
क्षमता : C-4.7 भुरगीं उत्पादक कार्यांबाबत आनी सेवेबाबत सकारात्मक दुश्टीकोन विकसीत करतात.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | समता, समरसता | 1. भुरगों सगळ्यां कडेन पार्श्वभूमी आनी क्षमतांचो विचार न करता खेळटा आनी संवाद करता. | 1. निसर्गभ्रमण, पिकनीक हें सारकें उपक्रम आयोजीत करून सहभोजनाची संदी निर्माण करप. भुरग्यांन आपले डब्यातलें पदार्थ हेरांक वाटून दिवप.<br>2. एकामेकाच्या खांद्याचेर हात दवरून नाच करप.<br>3. कसलोच भेदभाव करी नासतना इश्टागत करपी संदेश दिवपी चित्रफीत दाखोवप. | सहभोजन, नाच, चित्रफीत |

ध्येय : CG-5 भुरगीं उत्पादक कार्यांबाबत आनी सेवेबाबत सकारात्मक दृश्टीकोन विकसीत करतात.
क्षमता : C-5.1 हेराक मदत करपा खातीर वयाच्या नुसार सुयोग्य शारिरीक श्रम करपाची तयारी दाखयता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | हेरांक मदत करप, श्रम | 1. वर्ग सुव्यवस्थीत दवरपा खातीर शिक्षकांक मजत करता. | 1. वर्ग सुव्यवस्थीत दवरपा खातीर काम करपाची संदी भुरग्यांक दिवप. देख– (1) वर्गांत पडिल्लो कोयर कोयरापेटयेंत वडयता. (2) खेळणी, ठोकळे, बावल्यो हे सारके अध्ययन कोनशांतल्यो वेगवेगळ्यो वस्तू मांडपाक मजत करप. (3) क्रियाकलाप करतना शिक्षिकेन सांगिल्ल्या कामात मजत करप. (4) वर्ग सजोवपाक मजत करप. | कोयरापेटी, खेळणी, बावल्यो आनी हेर वस्तू |

ध्येय : CG-6 भुरगीं स्वता भोवतणच्या सैमीक वातावरणाबाबत कृतज्ञताभाव दाखयता.
क्षमता : C-6.1 सगळें प्रकारच्या जीवां बद्दल काळजी घेता आनी तांचे वांगडा रावपाचो आनंद उक्तायता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | भावनीक विकास | सजीव सृष्टी प्रेमभाव | 1. कारण नासतना झाडां जनावरां हांकां त्रास करना. | 1. सैम भोंवडी पिकनीक आयोजीत करून भुरग्यांक सैम आनी सजीव सृष्टी सहवासाचा आनंद अणभवपाक दिवप.<br>2. कुंडेत रोप लावप, उदक घालप.<br>3. गोठो वा गोशाळेक भेट दिवन गायींच्या सहवासात रावप. तांचे आंगावेल्यान हात फिरोवप.<br>4. गाय, म्हस, बैल, हाकां गवत दिवप.<br>5. झाडा आनी जनावरां हाचे विशीं इश्टागत भाव दाखोवपी चित्रफीत तयार करप.<br>6. झाडां आनी जनावरां हाचेंविशीं प्रेमभाव निर्माण करपी गाणी म्हणप. | कुंडी, रोपो, गोठो, गोशाळा, गाय, म्हस, बैल, झाडां, चित्रफीत, गाणी |

**विकास क्षेत्र : बोधात्मक विकास (विज्ञानमय कोश विकास)**
ध्येय : CG-7 भुरगीं निरीक्षण आनी तार्कीक विचाराने सरभवतणच्या जगाची जाणीव करता.
क्षमता : C-7.1 वेगवेगळ्या वर्गातल्या/ गटातल्या वस्तूं मदलो फरक आनी वस्तूंचो एकमेकांकडेन संबंद हांचे निरीक्षण करता, समजून घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सैम परिचय | वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, घडणूको | 1. वस्तू, व्यक्ती, चित्रां, प्राणी, पक्षी, घटना हे नांवा सयत वळखून स्वताचें वर्णन करता. | 1. वेगवेगळ्यो वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, घडणूको हांची चित्रा दाखवन तांचे नांव वळखपाक सांगप. देख- हत्ती, मांजर, कावळो, मोर, बस, स्टँड, बाजार.<br>2. वेगवेगळ्यो वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, घडणूको हांचें चित्र दाखोवन भुरग्यांक तांचे वर्णन करपाक सांगप.<br>3. वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, घडणूको हांची अदीक म्हायती दिवपाखातीर भुरग्यांक चित्रफीत दाखोवप आनी तेंविशीं भासाभास करप.<br>4. वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी हांचे वर्णन करून हांव कोण अशें विचारपी कोडी घालप.<br>5. वस्कू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी हांचेर आदारीत कविता म्हणप.<br>6. वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी हें विशीं बोलक्यो बावल्यांचो संवाद सादर करप. | वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, घडणूको हांची चित्रां, चित्रफीत, कोडी, कविता, बोलक्यो बावल्यो |
| बालवाटिका 2 | सैम परिचय | वस्तू, व्यक्ती, प्राणी, पक्षी, निरीक्षण | 2. परिचीत वस्तूच्या चित्रांतले 3 ते 5 भाग वळखता. | 1. प्राणी, पक्षी, व्यक्ती हांचे काय अवयव अपूर्ण आशिल्ले चित्र भुरग्यांक दाखोवप. भुरग्यांनी अपूर्ण अवयव वळखप. देख- एक कान, एक पाय, शेपूट नाशिल्ली गाय)<br>2. प्राणी, पक्षी, व्यक्ती हांचे चित्रांचे कापिल्ले भाग योग्य रितीन जोडून भुरग्यांनी चित्रां पुराय करप. (3 ते 5 भाग) | प्राणी, पक्षी, व्यक्ती हांची चित्रां, चित्रांचे कापिल्ले भाग |
| बालवाटिका 2 | सैम परिचय | श्रेणीबद्ध संबंद | 3. पंगडांतले श्रेणीबद्ध संबंद वळखता. (प्राणी आनी ल्हान पिला) | 1. कार्यपुस्तिकेतली प्राणी, पक्षी आनी तांची घरां हांच्यो जोड्या जुळयतात. | कार्यपुस्तिका |
| बालवाटिका 2 | सृष्टी परिचय | तुलना | 4. पंगडांत तुलना करता. | 1. गाय आनी म्हस हांची चित्रां दाखोवन तुलना करप. | चित्रां |
| बालवाटिका 2 | खेळ | पर्यायी क्रिडा साहित्य | 5. पर्यायी वस्तूंचो वापर करून खेळटा. (देख- टेलिफोन म्हण हेर वस्तू वापरता) | 1. कपड्याचे तुकडे एकठांय बांदून फुटबॉल खेळप.<br>2. खुर्चेर बसून गाडी चलोवपाचो खेळ खेळप. | कपड्याचे कुडके, खुर्च्यो |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वस्तूंचो परिचय | वस्तूंचो वापर | 6. वस्तू आनी तांचो वापर हांचे मदीं संबंद निर्माण करता. (देख- चमचो- खावपांखातीर, बादली- न्हावपाखातीर) | 1. कार्यपुस्तिका, वस्तू आनी तांचो वापर हांच्यो जोड्यो जुळयतात. | कार्यपुस्तिका |

ध्येय : CG-7 भुरगीं निरीक्षण आनी तार्कीक विचारान सरभवतणच्या जगाची जाणीव करता.
क्षमता : C-7.2 सैमाच्या निरिक्षणातल्यान कार्यकारणभाव समजून घेवन ती दाखोवपी सादी परिकल्पना मांडता आनी ताचें स्पश्टीकरण/ पडताळणेखातीर निरीक्षणाचो आदार घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | जीवन कौशल्य | निरीक्षण, ज्ञात माहितीचो वापर | 1. ज्ञात माहितीचो नवें संदर्भात वापर करता. (देख- पुस्तकांतले चित्रांप्रमाण ठोकळ्यांचो महाल/ मनोरा रचता) | 1. स्वताची कल्पना वापरून बोटांनी ठसेकाम करता.<br>2. पुस्तकांतली चित्रां पळोवन ठोकळ्यांचे आकार तयार करता. | कागद, रंग, ठोकळे, चित्रपुस्तका |
| बालवाटिका 2 | पर्यावरण | उन्हाळो, हिवाळो | 2. उन्हाळो, हिवाळो वळखता. | 1. उन्हाळ्यातल्या वातावरणाची चित्रां दाखयता. भुरग्यांकडेन संभाशण करून कडक वताचो त्रास, लागपी तान, आंगातल्यान येवपी घाम हें अणभवाची भासाभास करून उन्हाळो ही संकल्पना स्पश्ट करप.<br>2. स्वेटर, कानटोपी, ब्लॅन्केट ह्यो वस्तू आम्ही केन्ना वापरतात हेविशीं भासाभास करून 'हिवाळो' ही संकल्पना पुराय करप. | चित्रां |
| बालवाटिका 2 | पर्यावरण | सूर्य, चंद्र, तारे, ढग | 3. आकाशातलें खगोल शास्त्रीय गजाली वळखता. | 1. निसर्गभ्रमणातल्यान भुरग्यांक परिसर आनी आकाशाचें निरिक्षण करपाक प्रवृत्त करपी प्रस्न विचारप भासाभाशेंतल्यान सूर्य, कुपां हांचे विशीं चर्चा करप.<br>2. चित्रफीत दाखोवन रातचें वेळार दिसपी चंद्र, तांचे बदलते आकार, चकचकपी तारे हांचेविशीं चर्चा करप.<br>3. बोलक्यो बावल्यांच्यो माध्यमांतल्यान सूर्य आनी चंद्र हांच्यो भूमिका सादर करप.<br>4. सूर्य, चंद्र, तारे, कुपां हें विशयावेल्यो कविता सादर करप/ काणयो सांगप. | सूर्य, कुपां, चित्रफीत, बोलक्यो बावल्यों, कविता, काणयो |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | बोधात्मक विकास | आवड आनी निवड | 4. स्वताचे प्राधान्यक्रम, आवड व्यक्त करता आनी तें नुसार निवड करता. | 1. वर्गातले वेगवेगळ्यो वस्तू, खेळणी, साहित्य पसरावन दवरप. भुरग्यांनी खेळपाखातीर तांकां आवडपी वस्तू, खेळणी वा साहित्य निवडप. त्योच वस्तू वा खेळ कित्याक सोदलो हेविशीं भुरग्यांकडेन भासाभास करप.<br>2. भुरग्यांन आवडट्या वस्तूविशीं भासाभास करप. तेंच कपडे वा वस्तू कित्याक आवडटा हाचेर भासाभास करप.<br>3. आवडटो खेळ हें विशयाचेर बोलक्या बावल्यांचो संवाद. | वस्तू, खेळणी, साहित्य, बोलक्यो बावल्यो |
| बालवाटिका 2 | पर्यावरण | सूर्य, चंद्र, दीस, रात, कुपां, झाडां, पावस, उन्हाळो, हिवाळो | 5. शिक्षक आनी वांगडच्या मदतीन पर्यावरणातल्यो घटना आनी प्रसंगा बाबतीत सोप्या प्रस्नांच्यो जापो दिता. | 1. पर्यावरणाचेर आदारीत चित्रफीत, चित्रां भुरग्यांक दाखोवप.<br>2. सूर्य, चंद्र, दीस, रात, कुपां, झाडां पावस, उन्हाळो, हिवाळो हें सारकें परिचीत आशिल्ल्या विशयाचेर भुरग्यांक सोपे प्रस्न विचारप. भुरग्यांनी स्वता जावन इश्टांकडेन चर्चा करून प्रस्नांच्यो जापो दिवप. | चित्रफिता, चित्रां, पुस्तका |
| बालवाटिका 2 | पर्यावरण | झाडे, प्राणी, पक्षी | 6. झाडां, प्राणी, पक्षी हांच्या गरजेविशीं स्वताचे मत मांडटा. | 1. झाडा, प्राणी, पक्षी हें विशीं प्रेम आनी दयाभाव निर्माण करपी काणयो भुरग्यांक सांगप.<br>2. चित्रफीत, कविता, लोकगीतां हांच्या माध्यमातल्यान झाडां, प्राणी आनी पक्ष्यांच्योय काय गरजा आसतल्यो अशीं जाणीव भुरग्यांच्या मनांत निर्माण करप.<br>3. पंगडांत भासाभास करून झाडां, प्राणी आनी पक्षी हांच्या गरजाविशी स्वताचे मत मांडपाची भुरग्यांक संदी दिवप. | काणयो, चित्रफीत, कविता, लोकगीता |

ध्येय : CG-7 भुरगीं निरीक्षण आनी तार्कीक विचाराने सरभवतणच्या जगाची जाणीव करता.
क्षमता : C-7.3 दिसपट्टे जीणेंतल्या परिस्थितीत अध्ययन करपा खातीर सुयोग्य साधना आनी तंत्रज्ञान वापरता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | जीवन कौशल्य | निर्णय क्षमता आनी साधनांचो वापर | 1. खेळतना भुरगों सादी साधनां वापरपा कडे कल दाखयता. | 1. अध्ययन कोनशांतल्या भुरग्यांक तांचे आवडीचे साहित्य निवडून खेळपाची संदी दिवप. देख– नवे आकृतीबंध तयार करपा खातीर भुरग्यांनी आपले आवडीचे आनी योग्य आकाराचे, रंगाचे ठोकळे निवडप. भातुकली खातीर आवडीची आनी योग्य ती साधनसामग्री निवडप, खेळपा खातीर सादी, सोपी आनी आपले हातात धरता इतली बॅट, बॉल, रिंग आदी साहित्य निवडप, चित्र रंगोवपाखातीर आवडीचे रंग निवडप. | ठोकळे, भातुकलीचे साहित्य, बॅट, बॉल, रिंग, रंग |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | जीवन कौशल्य | तंत्रज्ञानाचो वापर | 2. डिजीटल आनी दृक्श्राव्य साहित्य वापरतना जतनायेन लक्ष दिता. | 1. डिजीटल आनी दृक्श्राव्य माध्यमाची साधने भुरग्यांक दाखोवप.<br>2. डिजीटल आनी दृक्श्राव्य माध्यमाच्या सहाय्यान शैक्षणीक अध्ययन अणभवा खातीर वेगवेगळ्या चित्रफीत दाखोवप. दृक्श्राव्य माध्यमातल्यान बडबडगीता, संवाद, संगीत, नृत्य, नाट्य हांचे अणभव दिवप.<br>3. डिजीटल आनी दृक्श्राव्य साधना वापरतना घेवपाच्या काळजी संबंदान भासाभास करप. | डिजीटल आनी दृक्श्राव्य साधना |
| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.1 एकापरस चड गुणधर्माच्या आदारान वस्तू पंगडांत आनी उपपंगडांत वेगळ्यो करतात. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | माहितीचे व्यवस्थापन | वस्तूचे वर्गीकरण<br>●आकार (लहान, व्हडलो, सगळ्यांत व्हडलो)<br>●लांबी (लांब, अशीर सगळ्यांत अशीर)<br>●वजन (जड, ल्हव, सगळ्यांत ल्हव)<br>●उंचाय (उंच, बुटको, सगळ्यांत बुटको) | 1. आकार, लांबी, उंची आनी वजन हांचेर आदारीत वस्तू तीन पंगडांत वेगळ्यो करता. (ल्हान आकाराचें व्हडल्या आकाराचें, सगळ्यांत व्हडल्या आकाराचें) | 1. शिक्षकांन भुरग्यांक प्रत्यक्ष वस्तू दाखोवन ल्हान–व्हडलो, लांब–अशीर, जड–हलको, उंच–मोटवो हें उतरांचो वापर करून तुलना करून दाखोवप.<br>2. वेगवेगळ्यो लांबीच्यो तीन–तीन वस्तू घेवन तांचे लांबी नुसार तीन गट करून दाखोवप आनी मागीर भुरग्यां कडल्यान ताचे प्रात्यक्षीक करून घेवप जशें- आखूड, लांब, सगळ्यांत लांब.<br>3. आकार, लांबी, उंची आनी वजन ह्या निकशाचेर भुरग्यां कडल्यान वस्तूंची तीन गटात विभागण करून घेवप. जशें आकारान ल्हान–व्हड, सगळ्यांत व्हड वस्तू, आखूड, लांब आनी सगळ्यांत लांब वस्तू, ल्हव, जड, सगळ्यांत जड वस्तू.<br>4. वेगवेगळ्या वस्तूंच्या चित्रांचे तीन पंगड आशिल्ले तक्ते लावन भुरग्यां कडल्यान वेगवेगळ्या तुलनात्मक उतरांचो सराव करून दिवप.<br>5. वेगवेगळ्यो वस्तू दिवन आकार, लांबी, वजन आनी उंची ह्या निकशाच्या आदाराचेर वस्तू क्रमान लावपाचो खेळ खेळप. | पेन, पेन्सील, पट्टी, ठोकळे, मणी, फुलां, पाना, बियां, खडे, खडूचे कुडके हें सारके वेगवेगळ्यो वस्तू |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.2 आपल्या सरभोंवतणच्या आकार आनी संख्या हांच्या आदारान सादो आकृतीबंध वळखता आनी विस्तार करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | आकृतीबंध | वस्तू, आकार, चित्रा हातूंतले आकृतीबंध वळखप आऩी विस्तार करप | 1. आकृतीबंधातलो पुनरावृत्ती आशिल्लो घटक वळखता. 3 ते 4 वस्तू, आकार, चित्रा वापरून ABC, ABC प्रकारचो आकृतीबंध तयार करता. | १. 3 ते 4 वस्तूंच्या मांडणीतल्या आकृतीबंधांचे निरीक्षण करपाक सांगप. घरटक आनी क्रम हाचेर भासाभास करप.<br>2. भुरग्यांनी कृतीपत्रिकेत दिल्ल्या आकृतीबंधात पुनरावृत्तीचे निरीक्षण करप आनी आकृतीबंध पुराय करप. देख- ○□△, ○□△, --------<br>3. दिल्ल्या 3 ते 4 वस्तू साकून भुरग्यांनी स्वता आकृतीबंध तयार करप आनी ताचो विस्तार करप.<br>4. आकृतीबंधांचे वैशीश्ट लक्षात घेवन आकृतीबंधांचो विस्तार करप आनी तो पुराय करप.  ---------<br>5. कातरीन कागदाच्यो पट्ट्यो आनी आकार कापप आनी तातूंत आकृतीबंध तयार करप. | पानां, फुलां, बियो, पेन्सिल, पेन-पुस्तक, फळे, आकार, कागद, कात्री |
| बालवाटिका 2 | आकृतीबंध | ध्वनींचे आकृतीबंध वळखप, विस्तार करप आनी तयार करप | 2. आवाज वा विशीश्ट कृतीं मदल्या आकृतीबंध वळखता. | 1. तीन आवाजांचो आकृतीबंध भुरग्यांक आयकपाक दिवप आनी पुनरावृत्ती करपाक सांगप.<br>2. तीन कृतींचो आकृतीबंध दाखोवप आनी भुरग्यांनी ती पुनरावृत्ती करपाक सांगप. | चमचो, वाटी, टेबल, भेंणो, कांदो, बटाट, कागद |
| बालवाटिका 2 | आकृतीबंध | हालचाल विशयक आकृतिबंधांची वळख, विस्तार आनी आकृतीबंध तयार करप | 3. तीन वेगवेगळ्या शारिरीक हालचालीचो आकृतीबंध स्पश्टपणान वळखता. | 1. तीन वेगवेगळ्या शारिरीक हालचालीचो आकृतीबंध दाखोवन भुरग्यांक पुनरावृत्ती करपाक सांगप. देख- उडी मारप, मान हालोवन वाऱ्यांत हात वयर करप.<br>2. चित्रफिताच्या माध्यमातल्यान भुरग्यांक वेगवेगळ्या शारिरीक हालचालीचें आकृतीबंध दाखोवन स्वताचें आकृतीबंध तयार करपाची संदी दिवप.<br>3. नृत्याच्या माध्यमातल्यान हालचालीची पुनरावृत्ती आनी स्वताचे आकृतीबंध सादर करपाची संदी दिवप. | चित्रफीत नृत्य |




ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.3 10 आनी 20 ह्या टप्प्यान 99 मेरेनच्या आंकडो (फुडे आनी फाटी) दोनय मोजता.


| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | संख्यानामे | संख्यानामे १ ते १० | 1. 10 मेरेनची संख्यानामा क्रमान सांगता/ गाता आनी ५ मेरेनची संख्यानामा आनी वस्तू हांची संगती लायता. | 1. 10 मेरेनची संख्यानामा क्रमान म्हणपा खातीर कृतीयुक्त बडबडगीता गाणी आयकोवपाक, म्हणपाक सांगप.<br>2. 10 मेरेनची संख्यानामा क्रमान म्हणपाचो सराव घेता.<br>3. 10 मेरेनचो वस्तूचो पुंजो घेवन ५ मेरेनचे संख्यानामा आनी वस्तू हांची एकास एक संगत लावन दाखोवप. वस्तू आनी संख्यानामा हांची एकास एक संगत लावप्याची भुरग्यांक संदी दिवप. | बडबडगीता, गाणी, वस्तू |
| बालवाटिका 2 | संख्यानामे | संख्यानामे १ ते १० वस्तू | 2. अंकांचे मूल्य समजून घेवन वस्तूंची मोजणी करप. (5 मेरेनचो संच वळखता) | 1. परिसरातील वस्तू मोजप.<br>2. दिल्ल्या वस्तू पुजांतल्यान भुरग्यांनी ५ मेरेनचो वस्तूचो गट कुशीक काडून दवरप.<br>3. 5 मेरेनच्या वस्तूचे/ चित्रांचे वेगवेगळे गट भुरग्यां मुखार दवरून तातूंतली वस्तू कितली हें वळखपाचो खेळ घेवप. | वस्तू, चित्रां |
| बालवाटिका 2 | संख्यानामे | संख्यानामे १ ते १० वस्तू | 3. संख्येबाबत समज दाखयता. | 1. 5 मेरेनचे खंयचेय संख्यानाम उच्चारून परिसरातल्यो खंयच्योय ५ वस्तू दाखोवपाक सांगप. | वेगवेगळ्यो वस्तू |
| बालवाटिका 2 | संख्यानामे | संख्यानामे 1 ते 10 वस्तू | 4. 5 मेरेन मूर्त आनी अमूर्त गजाली सहज मेजता. | 1. 5 मेरेनच्या वस्तू/ चित्रां/ प्रतिका हांचे मदतीन 5 गजाली मोजतां.<br>2. एखादी कृती कितले वेळा जाली तें मोजप. देखीक- टाळ्यो वाजोवप, उडयो मारप.<br>3. फिरप. | वस्तू, चित्रां, प्रत्रिकां |
| बालवाटिका 2 | संख्यानामे | संख्यानामे 1 ते 10 वस्तू | 5. 10 मेरेनची संख्या (याद करून) मेजता. | 1. कृतियुक्त बडबडगीतातल्यान 10 मेरेनच्यो संख्या याद करून क्रमान मोजपाचो सराव करप. | बडबडगीता |
| बालवाटिका 2 | संख्याबोध | संख्यानामे 1 ते 10 | 6. 20 मेरेनची संख्या मोजपाक सुरवात करतात. | 1. 20 मेरेनच्या संख्या, वस्तू, प्रतिका हांच्या सहाय्यान मोजपाक सांगप.<br>देख- १० आनी१ = 11<br>11 आनी 2 = 13<br>10 आनी 10 = 20 | वस्तू, प्रतिका, सापशिडी |
| बालवाटिका 2 | संख्याबोध | संख्यानामे 1 ते 10 | 7. 4 वस्तूंचो पंगंड एका नदरेन वळखप. (देख- 4 बिस्कीटां, फळां, ठोकळे न मोजता सांगता) | 1. वेगवेगळ्या वस्तू पंगंड/ चित्रां 4-4 च्या पंगडांत दाखोवन एका नदरेंन सांगपाची संदी दिवप. | वस्तू, पंगंड, चित्रां |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.4 चडत्या आनी उतरत्या क्रमान 99 मेरेनच्या संख्यांची मांडणी करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | संख्याबोध | क्रमसंबंद | 1. 3 स्तरांमेरेन आकाराच्या आदारान वस्तूंची क्रमावारी लायता आनी तांचे स्तर शब्दबद्ध करता. | 1. उंचाये नुसार तीन वस्तूंची तीन स्तरांत तुलना करप. तीनय वस्तूंची मांडणी करून उतरात सांगप.<br>2. लांबीनुसार, आकारानुसार, जाडीनुसार तीन स्तरात वस्तूंची मांडणी करून उतरांत सांगप.<br>3. वेगवेगळ्या ाकाराच्या तीन राशी मांडून भुरग्यांक तातूंतलो ल्हान व्हडलो आनी सगळ्यांत व्हडली रास वळखपाक सांगप. | वेगवेगळ्यो वस्तू |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.5 चडट्या आनी उतरत्या क्रमान 99 मेरेनच्या संख्यांची मांडणी करता.

<table>
<tr><th>स्तर/ यत्ता</th><th>घटक</th><th>उपघटक</th><th>अध्ययन निश्पत्ती</th><th>अध्ययन अणभव</th><th>अध्ययन साधना</th></tr>
<tr><td>बालवाटिका 2</td><td>संख्या आनी तांचो संबंद</td><td>संख्येची तुलना</td><td>1. 5 मेरेन संख्या वळखप.</td><td>1. वस्तूंची चित्रा आनी ताचें बरोबर तांची संख्या चिन्ना आशिल्ली चित्रकार्डा दाखोवन ५ मेरेनच्या संख्या आनी चिन्ना वळखपाक सांगप. देख–
<table>
<tr><td></td><td>१</td><td>टेबल</td></tr>
<tr><td></td><td>२</td><td>चेंडू</td></tr>
<tr><td></td><td>३</td><td>पाने</td></tr>
<tr><td></td><td>४</td><td>झाडे</td></tr>
<tr><td></td><td>५</td><td>फुले</td></tr>
</table>
2. 5 मेरेनच्यो वस्तू दाखोवन त्यो वस्तूदर्शक आकडो वळखपाक सांगप आनी वस्तूच्या सहाय्यान संख्येची तुलना करप.<br>
3. वस्तूंचो पंगंड दाखोवप ‘हाचे परस जास्त’, ‘हाचें परस कमी’ ह्या तुलनात्मक उतरांचो वापर करपाची संदी दिवप. देख– कानाची आकडो हातांच्या बोटांपरस कमी.</td><td>चित्र/ चित्रकार्डा</td></tr>
</table>

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | | 4. वस्तूंच्या संख्याची तुलना आनी तुलनादर्शक शब्दप्रयोग वापरप. देख–<br><br><br>●‘ब’ पंगडांत ‘क’ गटापरस कमी पानां आसात.<br>●‘क’ पंगडांत ‘ब’ पंगडांत चड पानां आसात.<br>●‘अ’ पंगडांत ‘ब’ पंगडांत कमी पानां आसात. | |
| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.6 संख्या जोडप आनी विभागप हें लवचीक कार्यनितीचो वापर करून दोन अंकी संख्यांची बेरीज आनी वजाबाकी अचूकपणान करता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | मूलभूत गणिती क्रिया | बेरीज | 1. 5 मेरेन वस्तूंचे दोन गट एकठांय करता. (देख– म्हजेंकडेन 2 आनी म्हजें बयणी कडेन 3 चॉकलेटस् आसात, तर आता आमचे कडेन एकूण कितल्यो चॉकलेटस् आसात?) | 1. 5 मेरेनच्या वस्तूंची दिवप-घेवप करून बेरीज हो संबोध स्पश्ट करपा खातीर खेळ घेवप. देख– अजयाकडेन दोन पुस्तका आसात, विजयाकडेन ३ पुस्तका आसात, जाल्यार दोगांय कडेन मेळून कितली पुस्तकां जातली?<br>2. दिल्ल्या वस्तू पंगडांतल्यान 1, 2, 3, 4, 5 वस्तूंचो गट तयार करप. काणी सांगून बेरीज हो संबोध लक्षांत हाडून दिवप. | |
| बालवाटिका 2 | मूलभूत गणिती क्रिया | वजाबाकी | 1. वस्तूंच्या पंगडांतल्यान ५ मेरेनच्यो वस्तू कुशीक काडटा आनी मोजता. | 1. 5 मेरेनच्या वस्तूंची दिवप-घेवप करून वजा-बाकी हो संबोध समजावून सांगप. देख– गीताकडेन 4 बॉल आसात. तातूंतले २ बॉल तिणे निताकडेन दिले जाल्यार गीताकडेन कितलें बॉल उरलें?<br>2. वजाबाकीची कृतीं आशिल्ली काणी सांगप. | बॉल, काणी |
| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.7 गुणाकार म्हणल्यार परत-परत बेरीज आनी भागाकार म्हणल्यार समान वाटणी समजता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | मूलभूत गणिती क्रिया | भागाकार पूर्व तयारी | 1. 2 जाणा मदीं वस्तूंची समान वाटणी करता. | 1. 6 चित्रकार्डांचो संच 2 जाणांत समान वाटपाक सांगप. दरएकाक कितल्यो वस्तू मेळ्ळ्यो? समान वाटणी जाली? हें संबंदी चर्चा करप. | चित्रकार्डा |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.8 मूलभूत भौमितीक आकार वळखता, ते तयार करता, ताचें वर्गीकरण करता. समजून घेवप, समजावून सांगप.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निस्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधने |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | भौमितीक | वळख वर्गीकरण | 1. वेगवेगळी मापा आनी रंग हांच्या आदारान आकारांच्यो जोड्यो लायता. | 1. भौमितीक आकार आनी तें आकाराच्या वस्तूंची जोड्यो लावप.<br>2. रंग आनी मापा वेगवेगळ्यो आशिल्ल्यो समान आकाराच्या गोलाकार वस्तूंची चित्रकार्डा आखून दिल्ल्या वर्तुळात मांडप.<br>3. रंग आनी मापा भिन्न आशिल्ल्या समान आकाराच्या वस्तूंची जोडयो जुळोवप.<br>4. रंग आनी माप भिन्न आशिल्लया समान आकाराच्यो चौकोनी वस्तूंची चित्रकार्डा आखून चौकोनात मांडप.<br>5. भुरग्यांनी वेगवेगळ्यो वस्तू एकठांय करून हाडप आनी वर्गात एकेक वस्तू हातात धरून ताचो आकार सांगप. शिक्षकान आकार सांगपा खातीर भुरग्यांक मदत करप.<br>6. ल्हान-व्हड आकारांचेर बियो/ खडे लावप.<br>7. सरभवतणच्या वेगवेगळ्या आकारा विशीं भासाभास करप. | कृतिपत्रिका, चित्रकार्डा, वेगवेगळ्यो वस्तू, आकाराबंध, बियो |
| बालवाटिका 2 | आकार | वर्गीकरण | 2. दोन घडणूकां नुसार वस्तूंची तुलना आनी वर्गीकरण करता. (देख- आकार-रंग, रंग-माप) | 1. शिक्षकांन वस्तूंचे आकार, रंग आऩी आकारमान हेंविशीं प्रत्यक्ष वस्तू दाखोवन भुरग्यांकडेन भासाभास करप.<br>2. भुरग्यांनी पयलीं आकार आनी रंग ह्या निकशांचेर आदारीत दिल्ल्या वस्तूंचे वर्गीकरण करप आनी मागीर वर्गीकरण केल्ल्या गटाचे रंग आनी आकारमान ह्या निकशांचेर वर्गीकरण करप. | वेगवेगळ्यो वस्तू |
| बालवाटिका 2 | आकार | वैशिश्ट | 3. वेगवेगळ्यो घटनाकृती, आकार तांच्या भौतीक वैशिश्ट्यांचे तांचे स्वताच्या भाशेंचे वर्णन करता. (देख- बॉल घरगळता, ताका कोनशें नासता, खोको घसरता आनी कोशें आसतात | 1. लांब पुठ्ठो आनी लाकडाची फळी वणटीक तेकोवन घरसगुंडी तयार करप. भुरग्यांक वेगवेगळ्यो वस्तू घसरगुंडीवेल्यान सोडपाक सांगून गोलाकार वस्तूंचे घरघळप आनी कोनशें आशिल्ल्या वस्तूंचे घसरप हांचो अणभव दिवप.<br>2. खंयच्यो वस्तू घरघरळतात आनी खंयच्यो वस्तू घसरतात हे विशीं प्रस्न विचारून भुरग्यांनी तांचे भाशेंत वस्तूंची वैशिश्टां सांगपाक प्रोत्साहन दिवप. | पुठ्ठो, लाकडी फळी, वेगवेगळ्यो वस्तू |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | अवकाशीय समज | स्थानदर्शक उतरांची समज | 4. स्तितीदर्शक उतरां समजून आकृतीबंध तयार करपा खातीर आकार, रंग, सुवात हांचो वापर करून पावड्या पांवड्यान दिल्ल्या सूचनांचे पालन करता. जशें ठिपक्यांची रांगोळी काडप, कोलाज करप. तें खातीर मर्दी, वयर, सकयल हें स्थानदर्शक उतरां समजून घेता. | 1. भुरग्यांक एखादे चित्र दाखोवन भासाभाशें द्वारा वयर, सकयल, मर्दी, कुशीक, फाटल्यान, पुडल्यान हें सारकें सुवातदर्शक उतरांची वळख करून दि.। <br> 2. शिक्षकान पावड्या पांवड्याचेर दिल्ल्या सूचनांचे मदतीन भुरग्यांन आकृतीबंध तयार करप. देख– चित्र रंगोवप, कोलाजकाम, ठसेकाम, फुलांचा हार गुंथप, रांगोळी काडप, घडीकाम करप, वर्गसजावट करप. | चित्रां, रंग, ठसेकाम, कोलाजकाम, साहित्य, फुलां, हार, रांगोळी, लेस, कागद |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.9 लागीच्या परिसरातली वस्तूंची लांबी, वजन आनी आकारमानानुसार सादी मोजमापा करपा खातीर साधन आनी एकक निवडता.

| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | मापन | लांबीचे मापन | 1. लांबी– दोन वस्तूंच्या लांबीच्या संदर्भात तुलना करता. --- च्या परस ल्हान, परस उंच, परस आखूड, परस लांब. | 1. भुरग्यांनी वर्गांतल्यो वस्तू, व्यक्ती हांचे निरीक्षण करून तांची लांबी, उंचाय आनी जाडीच्या संदर्भात एकमेकांकडेन तुलना करप. देख– भुरग्यांपरस शिक्षक चड उंच, पेन्सिलेपरस पट्टी लांब, खेळण्यात गोड्या परस हत्ती जड. <br> 2. भुरग्यांन स्वताच्या शारिरीक अवयवाची तुलना करप. देख– पायांच्या बोटांच्या लांबीपरस हातांच्या बोटांची लांबी चड. <br> 3. हातापरस पायाची लांबी चड. <br> 4. पोटापरस हाताची जाडी कमी <br> 5. बागेतली झाडां, रोपटी, पाना, पुलां, खेळाची साधना हें संबंदी भासाभास करून तांची लांबी, रूंदी, उंचाय आनी जाडी हांची तुलना करप. | वर्गांतली वस्तू, व्यक्ती, बाग, झाडां, रोपटी, पानां, फुलां खेळाची साधना |
| बालवाटिका 2 | मापन | वजनाचे माप | 2. वजन– दोन वस्तूंची तुलना तांच्या वजनाच्या संदर्भात करता. | 1. दोन वेगवेगळ्यो वस्तू दोन हातांत धरून भुरग्यांनी तांचे वजनाचो अणभव दिवप आनी ताच्या वजनाची तुलना करप. देख– द्राक्षापरस पेर जड आसा बॉलापरस खडू ल्हव आसा. | द्राक्षा, पेर, बॉल, खडू |
| बालवाटिका 2 | मापन | आकारमानाचे मापन | 3. आकारमान– आकारमान संकल्पना कविता, कथा हांचे माध्यमातल्यान व्यक्त करता. | 1. कथेच्या माध्यमातल्यान परिसरातली वस्तूच्या आकारमानाचें वर्णन आयकप आनी आकारमानाची संकल्पना जाणून घेवप. <br> 2. आकारमान ह्या संकल्पनेचेर आदारीत कृतीयुक्त गाणी म्हणून आकारमान हें संकल्पनेचो अणभव घेवप. <br> 3. आकारमानाचे वर्णन करतना चित्राचो वापर करप. | कथा, कृतीयुक्त गाणी, चित्रां |

| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.10 मिनटां, तास, दीस, आठवडे आनी म्हयने, वेळेचें मोजमाप हें एकका हातूंत कालमापन करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | कालमापन | वार, विशेश वार | 1. विशेश दीस वळखता जशें शेनवार, रविवार सुट्टिचो दीस. | 1. वारांची गाणी म्हणटा.<br>2. सोमारा शाळेंत गजाली करतना आयतार कितें केले तें सांगप.<br>3. आयतार कित्याक आवडटा हाचेर बोलक्यो बावल्यांचो संवाद. संवादात शेनवार आनी आयतार ह्या उतरांचो उपयोग करता. | गाणी, बोलक्यो बावल्यो |
| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.11 १०० रूपया मेरेनचें सादे वेव्हार करता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | नाणी, नोटो | नाणी आनी नाण्यांची तोंडवळख | 1. भारतीय चलनांतली नाणी वळखता. | 1. 1, 2, 5 ही नाणी भुरग्यांक प्रत्यक्ष दाखोवप.<br>2. दिल्ल्या नाण्यांतली 1, 2, 5 नाणी वेगळी करप.<br>3. 1, 2, 5 ही नाणी घेवन कागद आनी क्रेयॉन घेवन छाप काडप. | १, २, ५ ची नाणी कागद क्रेयॉन |
| ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.<br>क्षमता : C-8.12 ०० | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | गणितीय संप्रेक्षण | आकारनामे, संख्यानामे, सहसंबंध | 1. संख्यानामे आनी आकारांच्या नावांचो उपयोग करून साध्या सूचवण्याचो अर्थ लायता.<br>2. संख्यानामे आनी आकाराच्या नावांचो योग्य उपयोग करता. | 1. गणित अध्ययन कोनशांक वचून एक चौकोन, दोन त्रिकोण आनी तीन वर्तुळा घेवन यो अशीं सूचना दिवप.<br>2. भुरग्यांनी अर्थ समजून घेवन सुचोवण्याचें पालन करप.<br>3. भुरग्यांनी पंगडांत एकमेकांक वयलें सुचवणें प्रमाण कृती करप. | चौकोन, त्रिकोण, वर्तुळ |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता आनी ती वेगवेगळ्या राशी, आकार, मापां हांचो वापर करून जग समजून घेवपाक शकतात.
क्षमता : C-8.13 राशी आकार अवकाश आनी मोजमाप हे संदर्भात सोपी गणिता सोडयतात आनी तयार करतात.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | गणिताची कोडी | भौमितीक आकार तयार करप, भौमितीक आकाराचो वापर करून परिचीत आकृत्यो तयार करप. | 1. टॅनग्रॅमचो वापर करून विशिश्ट आकृती तयार करप. | 1. टॅनग्रॅमाचे वेगवेगळे आकार भुरग्यांक दाखोवन तें पासून एखादी आकृती तयार करपाचें प्रात्यक्षीक दाखोवप.<br>2. भुरग्यांनी टॅनग्रॅम हाताळून आकार वळखप.<br>3. भुरग्यांक टॅनग्रॅमचे वेगवेगळे आकार जोडून नवीन आकृती तयार करपाची संदी दिवप. देख- पक्षी, गाडी, घर. | टॅनग्रॅम |

**विकास क्षेत्र : भाशां आनी साक्षरता विकास**
ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.
क्षमता : C-9.1 सादी गाडी, बडबडगीता, कविता आयकता आनी आवड व्यक्त करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | श्रवण मौखीक भाशां | गाणी, बडबडगीता, कविता | 1. घरांत आनी परिसरांत आयकतात तें भाशेंत गाणी आयकता आनी संवाद करता. | 1. शिक्षकांन स्वता घरांत आनी परिसरात म्हणटात ती गाणी भुरग्यांच्या भावविश्वा कडेन लागीं आशिल्ली बडबडगीता म्हणून दाखोवप.<br>2. चित्रफीत आनी ध्वनीफिताच्या सहाय्याने सादी सोपी बडबडगीता आनी परिसरातली पारंपारीक गाणी आयकोवप.<br>3. वेगवेगळी बडबडगीता, गाणी, हावभाव, आवाजातलें चडउतार, ताल, कृती म्हणून दाखोवप.<br>4. आयकिल्ले बडबडगीत आनी गाणी म्हणून भुरग्यांनी आनंद घेवप. | वेगवेगळे बडबडगीत, गाणे, वाद्यां, चित्रफीत, ध्वनीफित |
| बालवाटिका 2 | श्रवण नाट्य | गाणी, बडबडगीता, अभिनय | 2. हावभाव आनी आवाजातल्या चडउतारा सयत गाणी म्हणता. | 1. चित्रफीत, नाट्यभिनय, बोलक्यो बावल्यो, मुखवटे हांच्यो माध्यमातल्यान भुरग्यांक गाणी, बडबडगीता आयकपाची संदी.<br>2. गाणी आऩी बडबडगीता कृतीयुक्त हावभावासयत शिक्षकांनी म्हणप, गाणी म्हणप आनी आनंद घेवप. | --- |
| बालवाटिका 2 | श्रवण नाट्य | गाणी, बडबडगीत, अभिनय | 3. हावभाव आनी आवाजातल्या चड-उतारा सयत गाणी म्हणटा. | 1. चित्रफीत, नाट्याभिनय, बोलक्यो बावल्यो, मुखवटे हांच्या माध्यमातल्यान भुरग्यांक गाणी आनी बडबडगीता आयकपाची संदी दिवप.<br>2. गाणी आनी बडबडगीता कृतीयुक्त हावभावासयत शिक्षकांनी म्हणप आनी भुरग्यांक म्हणपाक प्रोत्साहन दिवप.<br>3. भुरग्यांक तांच्या कृतीयुक्त गाण्यांच्यो चित्रफीत दाखोवन प्रोत्साहन दिवप. | चित्रफीत, बोलक्यो बावल्यो, मुखवटे, गाणी, बडबडगीत, मोबायल. |

| ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.<br>क्षमता : C-9.2 स्वता सादी गाणी आनी कविता तयार करप. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | श्रवण ध्वनीची जाण | यमकबद्ध ध्वनींची जाण | 1. गाणी आनी कवितेतलो यमकबद्ध उतरांचो आनंद घेता. | 1. यमकयुक्त गाणी आनी कविता आयकवप.<br>2. डिजीटल साधना आनी ध्वनिफिताच्या आदारान यमकयुक्त उतरां आशिल्ली गाणी आयकून भुरग्यांक यमकबद्ध उतरांचो आनंद घेवपाची संदी दिता.<br>3. शिक्षकान यमकबद्ध उतरांचेर जोर दिवन भुरग्यांक गाणी म्हणून दाखोवप, भुरग्यांचे ते उतरांकडेन लक्ष वतले.<br>4. भुरग्यांनी यमकबद्ध उतरां आशिल्ली गाणी म्हणून उतरां मदल्या नादाचो आनंद घेवप. | यमकयुक्त गाणी, कविता, दृक्-श्राव्य साधना |

| ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.<br>क्षमता : C-9.3 अस्खलितपणान संभाशण करता आनी अर्थपूर्ण संभाशण करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | संभाशण कौशल्य | अस्खलित अर्थपूर्ण उलोवप | 1. दिसपट्टे जीणेंतल्या वेगवेगळ्या शालेय परिस्थीतीत समवयस्क आनी शिक्षक हांचे वांगड भासाभास करता. | 1. सगळ्यां भुरग्यांक संभाशणाची संदी मेळची हे दृश्टीकोनांतल्यान वेगवेगळे भाशीक खेळाची रचना करप.<br>2. उलोवपाच्या उपक्रमांतल्यान दर एका भुरग्यांक उलोवपाक लावप.<br>3. चित्रवर्णन, चित्रकाणी करतना भुरग्यांक उलोवपा खातीर प्रस्न विचारपा खातीर प्रोत्साहन दिवप.<br>4. शिक्षकांनी भावनीक नातें निर्माण करून भुरग्यांक भावना, विचार करपाची संद दिवप.<br>5. वेगवेगळ्या उलोवपा खातीर आवश्यक शब्दसंपत्तीचेर आदारीत बोलक्या बावल्यांचो संवाद आयकवप.<br>6. भुरग्यांक वेगवेगळ्या वस्तूच्या माध्यमांतल्यान रंग, ध्वनी, चव, स्पर्श आनी हेर आकारांचो अणभव दिवप. तांचे कडेन स्वतंत्रपणान संभाशण करून व्यक्त जावपाची संदी दिवप.० | |
| बालवाटिका 2 | संभाशण कौशल्य | अणभव कथन, प्रस्न विचारप | 2. सोपे वाक्यांत सदचें अणभव सांगता आनी कितें केन्ना, कशें, कोण हीं उतरां वापरून सादें प्रस्न विचरता. | 1. कितें? कोण? कसे हाचेंर आदारीत भाशीक खेळ घेवप.<br>2. भासाभास करतना भुरग्यांनी घरांकडल्यान हाडिल्ल्या खंयच्याय वस्तू बाबत उलोवप.<br>3. परिसरातल्यो घटनां, प्रसंग, दिसपट्टे जीणेंच्या आदारीत मुक्त प्रस्नोत्तराचो वापर करून भुरग्यांच्या जिज्ञासेक आनी उलोवपाक प्रोत्साहन दिवप. | भाशीक खेळ, चित्रां, बावल्यो |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.
क्षमता : C-9.4 कठीण काम पुराय करपाक मौखीक सुचवण्यो दिता आनी हेरांक स्पश्ट तोंडी सुचवण्यो दिता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | श्रवण | सुचनांचे आकलन अनुपालन | 1. साद्या स्वरुपाच्या अनेक कृतीचो समावेश आशिल्ल्या सुचवणेचे पालन करता. (एकाच वेळार २ ते 3 सुचना दिल्यो जाल्यार) | 1. खेळ आनी हेर उपक्रम घेतना शिक्षकांनी कमीत कमी उतरांत वा पुराय वाक्यात सुचोवणी दिवप आनी विद्यार्थ्यांनी कृती करप.<br>2. भुरग्यांक एकाच वेळार 2-3 सुचोवण्यो दिवन भुरग्यां कडल्यान कृती करून घेवप.<br>3. सुचोवणीचे योग्य पालन केल्यार कौतुक करप.<br>4. शिस्त, स्वच्छता, बऱ्यो सवयीच्या संदर्भात शिक्षकांक सुचना दिवप. | बावली हेंर वस्तू |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.
क्षमता : C-9.5 कथन केल्ल्यो/ वाचिल्ल्यो काणयो समजून घेता आनी तातूंतली पात्रा, काणयेची कल्पना आनी बरोवप्याक किर्तें सांगपाचे लक्षात घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | श्रावण अभिव्यक्ती | काणी | 1. काणयेतली पात्रां आनी घडणूको याद करता. ते स्वताच्या भाशेंत सांगता. | 1. चित्रां, मुखवटे, बोलक्यो बावल्यो, खेळणी वापरून शिक्षकांनी भुरग्यांच्या अनुभव विश्वाकडेन जुळोवपी काणी सादर करता.<br>2. आवाजातलो चडउतार, उतारावेले जोर, हावभाव, कृती ह्या सगळ्यांतल्यान भुरग्यांचे मन काणयेकडे एकरूप करप.<br>3. कानयेचे नाट्यीकरण करून भुरग्यांक काय पात्रांच्या माध्यमातल्यान काणयेंत वांटेकार करून घेवप.<br>4. भुरग्यांनी काणयेतल्या पात्रांची नांवा सांगप.<br>5. काणयेतलें प्रसंग भुरग्यांनी आपले भाशेंत कथन करप. | काणी, चित्रा, मुखवटे, बोलक्यो बावल्यो, खेळणी |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.
क्षमता : C-9.6 स्पश्ट कथानका सयत लघूकथा आनी पात्रां हांचे कथन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | -- | -- | 1. हें गटा खातीर अध्ययन निश्पती ना. | -- | -- |

| ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भाशेंत संवाद सादपा खातीर प्रभावी कौशल्य विकसीत करता.<br>क्षमता : C-9.7 दिसपट्टो संवाद परिणामकारित्या साधपा खातीर उतरां आत्मसात केल्या उतरांचो वापर करून नवीन उतरांचो अर्थ लायता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | संभाशण | उतरां संग्रहाचो वापर | 1. विशीश्ट घडणूको आनी वर्गांतल्यो अभ्यास केल्या विशयाचेर प्राप्त उतरां संग्रहाचो उपयोग संभाशण करता. | 1. भासाभास, कथा, कविता, नाट्य, चर्चा, खेळ हें उपक्रमांतल्यान भुरग्यांचो शब्दसंग्रह विकसीत करता.<br>2. सण, उत्सव, खेळ, दिसपट्टे जीणेतलें प्रसंग हें विशयाचेर औपचारीक आनी अनौपचारीक संभाशण करून भुरग्यांक नवीन उतरांचो परिचय करून दिवप.<br>3. बोलके बावलेच्या माध्यमातल्यान दिसपट्टें जीणेच्या वेगवेगळ्या प्रसंगाचेर आदारीत संभाशण आयकता.<br>4. भुरग्यांक संभाशण करपाची संदी दिवपा खातीर जाणीवपूर्वक संभाशण प्रसंगांची निर्मणी करप. | कथा, कविता, नाट्य, खेळ, बोलक्यो बावल्यो |
| ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.<br>क्षमता : C-10.1 शब्दध्वनीची जाणीव जावन शब्दध्वनी/ अक्षरां उतरांत गुंफता आनी उतरांतल्यान शब्दध्वनी, अक्षरां वळखता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | श्रवण | यमक अनुप्रास रसग्रहण | 1. यमक आनी अनुप्रास वळखता. | 1. यमक आनी अनुप्रासयुक्त बडबडगीता आनी गाणी आयकोवप.<br>2. यमक आनी अनुप्रासयुक्त उतरां नादयुक्त पद्धतीन म्हणून भुरग्यांक शब्दसंगीताचो आनी नादाचो अणभव घेवप.<br>3. परत-परत म्हणील्ली गाणी भुरग्यांक म्हणपाक लावन भुरग्यांक यमक आनी अनुप्रासयुक्त उतरांची वळख करून दिवप. | बडबडगीता, गाणी |
| बालवाटिका 2 | वाचन | वाचनपूर्व तयारी, ध्वनीची जाणीव, अक्षर वळखप ध्वनीचिन्ह संबंद | 2. उतरांतली प्रारंभिक आनी अंतिम अक्षरां वळखतात. | 1. उतरांचो स्पश्ट आनी शुद्ध उच्चार पयल्या आनी तिसऱ्या अक्षराच्या आवाजाकडेन भुरग्यांचे लक्ष वेधप.<br>2. मुळाक्षर कार्ड दाखोवन ताचो उच्चार करून आवाज आनी मुळाक्षर हांच्या सहसंबंधाची समज निर्माण करप.<br>3. शिक्षकांनी उतरांचे चित्रकार्ड दाखोवप. अक्षरांचो उच्चार करप. भुरग्यांनी त्या अक्षरांच्या संख्ये इतल्यो उडयो मारप.<br>4. भुरग्यांनी आपली नदर सकयल-वयर, डावे-उजवे वटेन फिरोवपाचो सराव करप.<br>5. अक्षरांच्यो आनी उतरांच्यो जोडयो जुळोवप, सोयरो कोण वळखप, उतरां भेंड्यो खेळप हे सारक्यो कृती करप. | उतरांकार्डा, मुळाक्षर कार्डा, कृतिपत्रिका |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | ध्वनीची जाणीव | वर्णमाला | 3. सादी उतरां तयार करपा खातीर 2-3 अक्षरध्वनी जोडटा. | 1. भुरग्यांक दोन अक्षरी लिखीत उतरां दाखोवप आनी उच्चार करप.<br>2. दोन अक्षरी उतरां संग्रह घेवन उतरां तोडपाचो खेळ खेळप. (दोन अक्षरी उतरां जातकच तीन आनी चार अक्षरां घेवन हीच कृती करप)<br>3. उतरांतली स्वर आनी व्यजनां दाखोवपा खातीर शिक्षकांन वेगवेगळे उतरां आयकोवप.<br>4. स्वर आनी व्यंजनाचे कार्ड दाखोवन ताची वळख करून दिवप.<br>5. उतरां तोडपाच्या खेळांत अक्षरकार्डाचो वापर करप. | दोन अक्षरी, तीन अक्षरी, चार अक्षरी उतरां, अक्षरकार्ड |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.2 पुस्तकाची मुळावी रचना/ मुद्रित उतरांची कल्पना वळखता, मुद्रित जाल्या मजकुराची दिशा समजून घेता आनी पुस्तकांतली प्राथमिक विरामचिन्ना वळखता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वाचन | वाचनपूर्व तयारी | 1. पुस्तक धरता, उघडटा, वाचपा खातीर पानां परतीता. | 1. भुरग्यांचे लक्ष वेधून घेवपी मुक्त वाचनालय, वाचन कोनसो उपलब्ध करून दिवप.<br>2. व्हडलें चित्र आशिल्ले वा ल्हान मजकूर आशिल्लें आकर्शक साहित्य भुरग्यांक हाताळपाक दिवप.<br>3. पुस्तक हातांत धरप, चाळप ह्यो कृती शिक्षकांन करून दाखोवप वा भुरग्यांकडल्यान करून घेवप.<br>4. भुरग्यांनी पुस्तका हाताळप आनी चित्रां पळोवपाचो आनंद घेवप.<br>5. ल्हान-ल्हान प्रस्न विचारून तुकां आवडटा तें चित्र दाखय, तुकां आवडला तें चित्र इस्ट-इस्टिणीक दाखय अश्यो कृती करप.<br>6. पुस्तकाच्या मुखपृश्टाविशीं चर्चा करप.<br>7. पुस्तकाविशीं गाणी म्हणप. | रंगीत मुखपृष्ठां, चित्रां आशिल्ली पुस्तकां, गाणी, वर्तमानपत्रांची रंगीत कात्रणां |
| बालवाटिका 2 | वाचन | चित्र वाचन | 2. डावेकडल्यान उजवे वटेन आनी वयल्यान सकयल उतरांचे अनुसरण करता. | 1. भुरग्यांच्या भावविश्वातल्या काणयेंची चित्रां तांची नांवा अशें चित्रनाम पट्ट्यांचे मार्गदर्शन वाचन करून घेवप.<br>2. वाचन करतना डावेकडल्यान उजवे वटेन आनी वयल्यान सकयल करावे हे वाचनपट्ट्यो वाचतना समजून दिवप. | चित्रनामपट्ट्यो |
| बालवाटिका 2 | वाचन | चित्र वाचन | 3. शब्द आनी ध्वनींचो योग्य रीतीन उच्चार करून वाचन करत आशिल्ल्याचे दाखयता. | 1. चित्रशब्द कार्डाचो वापर करून वाचनाचो सराव करून दिवप.<br>2. मार्गदर्शीत वाचन करप.<br>3. एका नदरेंन वाचन करप.<br>4. आपल्याक वाचपाक येता हें भुरग्यांच्या भावनेक प्रोत्साहन दिवप.<br>5. अक्षरध्वनी आनी तांचे मुकांतले उगमस्तान हांची जाणीव करून दिवपी उच्चारां सयत वाचून दाखोवप. भुरग्यां कडल्यान वाचून घेवप. | रंगीबेरंगी चित्रां आशिल्ल्या मुखपृस्टांची पुस्तकां, नामपट्ट्यो |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.3 भाशां (L1)चें लिपीयतलें सगळीं अक्षरां आनी अवयव वळखता. हें ज्ञानाचो उपयोग शब्दवाचन-लेखना खातीर करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वाचन लेखन | वाचनपूर्व आनी लेखनपूर्व तयारी | 1. दृश्य स्वरूपात मुळाक्षरा आनी संबदीत ध्वनींची सांगड घालपाची सुरवात करता. | 1. एकामेकांक मिसळिल्ल्या मुळाक्षरांतल्यान तोंडातल्यान एकाच स्थानाचेंर उच्चार करपी मुळाक्षर सोदपाच्या कृतीचे प्रात्यक्षीक दाखोवप.<br>2. मुळाक्षरांकडेन भुरग्यांच्या परिचीत कृतीची सांगड घालप.<br>3. कृतीवेल्यान खंयचे मुळाक्षर हें वळखवपाचो खेळ घेवप.<br>4. अक्षराचो ध्वनी आनी ताचे तोंडातले उगमस्थान हांतलो संबंद लक्षांत हाडून दिवप.<br>5. अक्षर आनी तांची उतरां हाचेंर आदारीत गाणी म्हणप. | अक्षराचे गाणे, चित्रपट्ट्यो, अक्षरपट्ट्यो, चित्रतक्ते, अक्षरतक्ते |
| बालवाटिका 2 | वाचन | शब्दवाचन (दोन अक्षरी) | 2. परिचीत अक्षरांनी तयार जाल्लें दोन अक्षरी सोपी उतरां वाचता. | 1. भुरग्यांक परिचीत अक्षरांचे कार्ड दाखोवन अक्षर वळखात हो खेळ खेळप.<br>2. दाखयिल्ल्या अक्षरांचे मार्गदर्शित वाचन करून ते अक्षरा साकून दोन अक्षरी उतरां कशें तयार जातात, ताचे योग्य उच्चारण कशें करप, हाचें प्रात्यक्षीक करून घेवप.<br>3. भुरग्यांक परिचीत आशिल्ल्या मुळाक्षरांचो कार्डाच्या मदतीन दोन अक्षरी उतरां तयार करप.<br>4. भुरग्यांच्या वयोगटांत योग्य चित्रवाचन करून घेवप. | मुळाक्षरां कार्ड, शब्दकार्ड, चित्रकार्ड |
| बालवाटिका 2 | उतरां परिचय | परिसरातली वस्तू | 3. परिसरात दिसपी वस्तूंची, बरयल्ल्या नांवांची दृश्य उतर म्हणून वळखता. | 1. चित्र, भासाभाशेंच्या माध्यमांतल्यान परिसरांतले सगळ्यां वस्तूची, नांवांची वळख करून दिवप.<br>2. परिसरातले वेगवेगळे घटक, चित्रभासभास फलक लेखन आनी नामपट्ट्यांच्या माध्यमातल्यान भुरग्यां मुखार हाडप.<br>3. परिसरांतली परिचीत नावां दोळ्या मुखार हाडून ताचेंर आदारीत शब्दकोडी, वळखात, चला खेळयां हो उपक्रम घेवप. | चित्रकोडे, नामपट्ट्यो |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.4 भाशां एक (L1) मदीं काणी आनी उतारो योग्य जाग्यार रावन, आवाजातलो चड-उतारा सयत अचूकपणान आनी बरें रितीन वाचता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वाचन लेखन | वाक्य वाचन | 1. वळखीची अक्षरां ध्वनी आनी सहज दिसपी उतरांचो वापर करून ल्हान वाक्यां वाचता. | 1. भुरग्यांक दिसपट्टे वापरांतले कृतीचें चित्रकार्ड दाखयता.<br>2. कृतींच्या चित्रांकडेन संबंदीत शब्दकार्ड भुरग्यांक दाखोवप.<br>3. भुरग्यांनी चित्रकार्ड आनी उतरां कार्ड हांच्यो जोड्यो लावप.<br>4. उतरां वेल्यान चित्र वळखप आनी चित्रां वेल्यान उतर वळखपाचो खेळ घेवप.<br>5. उतरांकार्डा वेल्यान उतरांचो वापर करून भुरग्यांक वाक्यां करपाक लावप.<br>6. भुरग्यांनी तयार केल्ली वाक्यां फळ्यांचेर बरोवन टाळयो वाजोवन अपुरबाय करप.<br>7. ल्हान वाक्यांचे वाचन करप. | कृती, चित्रकार्डा, उतरांकार्डा |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.5 स्वता जावन पात्रांची वळख, कथाबीज आनी बरोवप्यांक जे सांगपाचे आसा ते समजून काणी सांगता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वाचन | सहभागी वाचन | 1. शिक्षकां वांगडां वाचनात भाग घेतात आनी वाचिल्ल्या भागाविशीं चर्चेत वांटो घेता. | 1. शिक्षकांन आवाजातलें चडउतार योग्य हावभावासयत काणयेचें वाचन करप.<br>2. पुस्तकाचे मुखपृश्ट आनी मलपृष्ठाविशी भुरग्यांकडेन भासाभास करप.<br>3. पुस्तकांतली चित्रां, वाचिल्लीं काणी, पात्रां हें विशीं सुचक प्रस्न विचारून भुरग्यांक उलोवपाक लावप आनी भुरग्यांच्या मनांत वाचनाची गोडी निर्माण करप. | रंगीत चित्र, व्हडली चित्रां आनी म्हायती आशिल्ली पुस्तकां |
| बालवाटिका 2 | वाचन, कथन | चित्रपुस्तक वाचन, कथन | 1. चित्रपुस्तका वाचता, तातूंतली पात्रां कथानक वळखता आनी घडणूकाचो योग्य क्रम लावन काणी सांगप. | 1. भुरग्यांनी रंगीत चित्रां आनी मजकूर आशिल्ल्या पुस्तकांचे वाचन करप.<br>2. काणयेंतली पात्रां घडणूको, कितें घडले, फुडें कितें जालें हें सारकें प्रस्न विचारून घडिल्ल्या घडणूकांचो योग्य क्रम लावपा खातीर शिक्षकांन भुरग्यांक मजत करप.<br>3. भुरग्यांनी घडणूकांचो योग्य क्रम लावन काणी परत सांगप.<br>4. सामायिक वाचनाचो उपक्रम घेवप. | रंगीत चित्रां, मजकूर आशिल्ल्या काणयेंची पुस्तकां |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.6 कवितेतल्यो कल्पना आनी उतरां येजवणो हांचे रसग्रहण करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | -- | -- | 1. हें वयोगटा खातीर अध्ययन निस्पती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.7 ल्हान बातम्यो, सूचवण्यो, पाककृती आनी प्रकाशीत साहित्य वाचता आनी तातूंतले अर्थांचे आकलन करून घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | -- | -- | 1. हें वयोगटा खातीर अध्ययन निस्पती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.8 स्वताक समजल्यो काणयो सांगपा खातीर स्वताचे अणभव उक्तावपा खातीर लेखन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | लेखन | चित्रकला आनी लेखन साहित्याचो वापर | 1. चित्रकलेचे वा लेखनाचे साहित्य सहज वापरता. | 1. भुरग्यांक क्रेयॉन, खोडू, पेन्लिस, ब्रश, रंग हें सारके साहित्य दिवन चित्रकलेची आनी लेखनाची कृती करून घेतात.<br>2. भुरगें चित्रकलेचे आनी लेखनाचे साहित्य हातात कशें धरतात आनी ताकां कशें हाताळतात हाचें कडेन शिक्षकान विशेश लक्ष दिवप आनी योग्य मार्गदर्शन करप.<br>3. साहित्य वापराचो भुरग्यां कडल्यान सराव करून घेवप.<br>4. भुरग्यांन ल्हान गटात विभागून पोस्टर्स तयार करप. | क्रेयॉन, खोडू, ब्रश, रंग, पेन्सिल, कागद |
| बालवाटिका 2 | लेखन | चित्रकला आनी लेखन साहित्याचो वापर | 2. स्वलिपीत उब्यो-आडव्यो रेशो गोल, अर्दगोल, झिगझॅग रेसा हांचो वापर करून काडिल्ल्या चित्रां बद्दल बरयता. चित्र आनी स्वलिपीतील लेखन वेगवेगळे दिसता. | 1. भुरग्यांक ताच्या भावविस्वातली मोठी आनी आकर्शक चित्रां, पुस्तकां दाखोवप. ताचेंर अनौपचारिक भासाभास करप आनी ताकां योग्य चित्रांविशी उलोवपाक लावप.<br>2. भुरग्यांक चित्रा बद्दल स्वलिपी तल्यांन व्यक्त जावपाक प्रोत्साहन दिवप. | मोठी आनी आकर्शक रंगीत चित्र लेखन साहित्य |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | लेखन | लेखनपूर्व तयारी | 3. लेखनात पारंपारिक अक्षरां नासली तरीय लेखी भाशेंची वैशिश्टां दिसतात. जशें- स्वलिपीतलें दोन शब्दांमदीं अंतर सोडप, स्वलिपीतल्या उतरांचेर शिरोरेशा दिवप. | 1. भुरग्यांक तांच्यो कल्पना, भावना, विचार स्वनिर्मित स्वलिपीत मांडपाक सांगप.<br>2. भुरग्यांच्यो स्वलिपीत मांडिल्यो कल्पना, भावना आनी विचार हांचेर भासाभास करून ताच्या लेखनाचो स्विकार करप आनी प्रोत्साहन दिवप.<br>3. भुरग्यांनी स्वलिपीत बरयिल्ल्या साहित्याचे शिक्षकांनी निरिक्षण करप. तातूंत भाशेंच्या वैशिश्टां मदीं दोन उतरांतले अंतर, सिरोरेशा, उतरांचो योग्य आकार आसा काय हे पलोवप आनी तें विशीं भुरग्यांकडे उलोवप. | कागद, लेखन साहित्य |
| बालवाटिका 2 | अभिव्यक्ती | स्वलिपीतलो मजकूर | 4. आपूण स्वलिपीत बरयिल्लो मजकूर तोंडी सांगता. | 1. भुरग्यांनी स्वलिपीत बरयिल्लो मजकूराचे शिक्षकांन निरिक्षण करप.<br>2. भुरग्यांनी स्वलिपीत बरयिल्लो मजकूर तोंडी सांगप.<br>3. स्वलिपीतले मजकुराबाबत भुरग्यांनी गटांत दिवप-घेवप आनी भासाभास करप. | कागद, लेखन साहित्य |
| बालवाटिका 2 | लेखन | स्वची अभिव्यक्ती | 5. स्वताचे नांव बरोवक शकता. | 1. कृतीयुक्त खेळ घेवन वांटेकार जाल्या विद्यार्थ्याचे नांव शिक्षकान फलकाचेर बरोवप आनी मोठ्यान आवाजान वाचप.<br>2. भुरग्यांनी आपल्या नावाचे कार्ड सोदपाचे खेळ घेवप.<br>3. भुरग्यांन आपल्या नावाचें कार्ड वाचप आनी बरोवप. भुरग्यांनी बरयिल्ल्या नांवाचो स्विकार करप. | कृतियुक्त खेळ, भुरग्यांचे नांवाचे कार्ड |
| बालवाटिका 2 | लेखन | अनु-लेखन | 6. शिकिल्ल्या अक्षरकांचो आनी आंकड्यांचो स्वलिपीतल्या लेखनात अंतर्भाव दिसता. मात ही अक्षरां बरोवपात खंयय, कशीय वापरिल्ली दिसतात. | 1. भुरग्यांनी कार्डा वयलें नांव पळोवन बरोवपाक सांगप.<br>2. परिसरातलें वेगवेगळें प्रामी, पक्षी, फळां, फुलां हांच्या नांवाची कार्डा आनी आंकडे कार्डा भुरग्यांक दाखोवन बरोवपाक सांगप.<br>3. भुरग्यांनी स्वलिपीत बरयिल्ल्या अक्षरांचो आनी आकड्यांचो स्वीकार करप. | भुरग्यांची नांवा, प्राणी, पक्षी, फळां, फुलां हांची नांवाची कार्डा |
| बालवाटिका 2 | लेखन | अक्षर वळख आनी लेखन | 7. परिचीत अक्षरां बरोवपाक सुरवात करता आनी ताचो वापर सोपी उतरां तयार करपाक करता. | 1. भाशीक खेळाच्या माध्यमांतल्यान भुरग्यांक परिचीत उतरांचे लेखन करपाक सांगप.<br>2. भुरग्यांक चित्रकार्ड पळोवन संबंदीत उतरां वा चित्र हें बाबतीत भासाभास करप. तें उपरान्त चित्रकार्डा वेल्यान उतर बरोवप.<br>3. भुरग्यांनी बरयिल्ल्या शब्दलेखनाचे कौतुक करता. | भाशीक खेळ, चित्रकार्डांचो संग्रह |
| बालवाटिका 2 | चित्रकला | रेखाचित्रां, रंगकाम, अभिव्यक्ती | 8. दृश्य आकार आनी वस्तू अचूकपणान रेखाटता आनी रंगयता आनी रेकाटिल्या चित्राचे तोंडी वर्णन करता. | 1. भुरग्यांक तांचे आवडीचे चित्र काडपाची संदी दिवप.<br>2. तांच्या परिचयाचा एकादो विशीस्ट विशय दिवन चित्र काडपाक सांगप.<br>3. भासाभास करून भुरग्यांक तांचे चित्रां बद्दल व्यक्त जावपाची संदी दिवप. | कागद, चित्रकलेचे साहित्य |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां हातूंत बरें रितीन वाचन/ लेखन करतात.
क्षमता : C-10.9 भुरग्यां खातीर आशिल्ली वेगवेगळी पुस्तकां वाचपाक आवड दाखयता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | वाचन | पुस्तकाची निवड | 1. शिक्षकांन समोर दवरिल्ल्या जायतें पुस्तकांतल्यान एका पुस्तकाची निवड करता आनी विशीस्ट पुस्तक निवडीबद्दल स्पश्टीकरण दिता. | 1. भुरग्यांनी बालगीत, बडबडगीत, काणी बोधकथा, संस्कृती निगडीत कता अशी बालसाहित्यातली वेगवेगळें चित्रमय पुस्तक हाताळपाक दिवप.<br>2. भुरगी खंयचीय पुस्तका हाताळतात, खंयच्या पुस्तका बाबत ताकां रूची आसा हाचें शिक्षकांन निरिक्षण करप.<br>3. भुरग्यांनी निवडिल्ल्या पुस्तकांविशीं चर्चा करप आनी निवडिल्ल्या पुस्तका बाबत विचार जाणून गेवप.<br>4. भुरग्यांनी आयकल्या वा चित्रांतल्यान वाचिल्ल्या पुस्तकांतली काणी, गाणी सांगपाची संदी दिवप. | -- |
| बालवाटिका 2 | सामाजीक विकास | पुस्तक जाग्यार दवरप | 2. पुस्तकां वर्गांतल्या नियोजीत जाग्याचेर परत दवरता. | 1. भुरग्यांक आकर्शीत करतात अशीं वाचनालय आनी पुस्तक दवरपाची जागा उपलब्ध करप.<br>2. पुस्तक हाताळून जातकच ते व्यवस्थीत जाग्यार दवरपा खातीर भुरग्यांक मार्गदर्शन करप.<br>3. भुरग्यांक पुस्तक जागेचेर दवरल्यार कौतुक करप. | वाचनालय, पुस्तक दवरपाची जागा |

ध्येय : CG-11 भुरगीं भाशां दोन (L1) वाचन, लेखनाचो आरंभ करता.
क्षमता : C-11.1 शब्दध्वनीचें जामीव जावन श्दध्वनी/ अक्षर एकठांय करून शब्द तयार करता आनी शब्दातले शब्दध्वनी/ अक्षरां वेगळी करतात.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | -- | -- | 1. हें वयोगटाखातील अध्ययन निस्पती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-11 भुरगीं भाशां दोन (L) वाचन, लेखनाचो आरंभ करता.
क्षमता : C-11.2 लिपयेतलीं परत परत येवपी उतरां वळखता आनी हें ज्ञानाचो उपेंग उतर वाचन-लेखन खातीर करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | -- | -- | 1. हें वयोगटाखातील अध्ययन निस्पती ना. | -- | -- |

**विकास क्षेत्र : सौंदर्यात्मक आनी सांस्कृतीक विकास**

ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करता. आनी तांच्यो भावना अर्थ पुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेद्वारा व्यक्त करता.

क्षमता : C-12.1 वेगवेगळ्या आकाराच्या द्विमितीय आनी त्रिमितीय कलाकृती तयार करपा खातीर वेगवेगळ्यां प्रकारचें साहित्य आनी साधनां हाताळता आनी तें बरोबर खेळटा.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | दृश्यकला | साधनांचो वापर | 1. साहित्य आनी साधनां वापरतना वेगवेगळ्या प्रकारान धरता आनी हाताळटा. (देख- काडयो, बियो, फातर, दोरो, पेन्सिल, ब्रश, कातर) | 1. कला साहित्याच्या साधनांचेर योग्य रितीन पकड येवपा खातीर भुरग्यांक मार्गदर्शन करप आनी तांचे कडल्यान सराव करून घेवप. देख- रांगोळी हाताळप, एक रिकामो खोको दिवन पांच बोटांनी खोक्यांत रांगोळी सोडप. मागीर चार, तीन, दोन आदी.<br>2. काडयो, बडयो, फातर, दोरो, पेन्सिल, ब्रश, भुकटी, कातर हीं साधना पाताळपा खातीर शिक्षकांन योग्य मार्गदर्शन करून भुरग्यांकडून सराव करून घेवप. | रांगोळी, खोको, काडयो, बियो, फातर, दोरो, पेन्सिल, ब्रश, भुकटी, कातर |
| बालवाटिका 2 | दृश्यकला | चित्रकला मण्याचे आकार खोडवान काडिल्ले आकार | 2. समवयस्क, सुलभक आनी स्थानीक समुदायाच्या सहयोगान व्हडल्या स्वरूपाची कामा करता. | 1. गटश कलाकृती तयार करप. देख- वण्टीचित्रां काडप आनी मुक्तपणान रंगोवप.<br>2. खोडवाच्या मदतीनं रेघोट्यो मारून वेगवेगळे आकार तयार करप.<br>3. मणयांचो वापर करून जमिनीचेर वेगवेगळे आकार तयार करप.<br>4. काडयांचो वापर करून जमिनीचेर वेगवेगळे आकार तयार करप.<br>5. वांगडच्याच्या मदतीन हाताचे बोटांचे ठसे काडून चित्र तयार करप.<br>6. रेवेंत आकृती तयार करप. | खोड, रंग, मणी, काडयो, रेंव |
| बालवाटिका 2 | दृश्यकला | मातीकाम | 3. माती वा कणिक हे सारके साहित्य थापून वा वळकटी करून तरिमितीय (३ऊ) आकार तयार करता) | 1. माती कुटप, चाळप, भिजोवप, पीठ मळप, बारीक-बारीक गुळे करप, थापप अश्यो कृती भुरग्यां कडल्यान करून घेवप. मातीयेचे गुळे आनी पिठाचे गुळे दिवन भुरग्यांनी तांचे कल्पने प्रमाण आकार दिवप. | माती, पीठ |
| बालवाटिका 2 | दृश्यकला | ठसेकाम (मुद्राचित्रण) | 4. ब्लॉक्स, स्टेन्सिल, मेळिल्या वस्तू आनी नैसर्गीक साहित्य हांचो सोप्यो रचना करता. | 1. परिसरातली पानां, फुलां, फळां, लाकडी तुकडें, स्टेन्सिल्स हे सारकें वस्तू भुरग्यांक गोळा करून हाडपाक सांगप. | ठसेकामाचें साहित्य, कागद, रंग |

ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करता. आनी तांच्यो भावना अर्थ पुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेद्वारा व्यक्त करता.
क्षमता : C-12.2 संगीत भूमिकाभिनय, नृत्य आनी वेगवेगळ्यो हालचाली हांची निर्मिती करपाखातीर स्वताचो आवाज, कूड, सुवात, वेगवेगळ्यो वस्तू हांचो चौकसपणान उपेंग करता आनी खेळता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | संगीत | तालबद्धता, लय | 1. स्वताचो आवाज, शरीर, वाद्यां आनी हेंर साधनांचो वापर करून तालबद्धतेचो सोद घेतना द्रुत आनी संथ लय हांचो फरक करता. | 1. द्रुत आनी संथ लयीतली गाणी म्हणप.<br>2. द्रुत आनी संथ लयीतली गाणी म्हणतना टाळयो वाजोवन भुरग्यांक लयीचो अणभव दिवप.<br>3. हात आनी पायाच्या कृतींचो वापर करून एकच गाणे संथ लयीत आनी द्रुत लयीत म्हणप.<br>4. वाटो, पेलो, चमचो, डबो, बंडी हें सारक्यो वस्तू आनी घुमट, टाळ, खंजीर हें सारकें लोकवाद्यांच्यो वापर करून द्रुत आनी संथ लयीचो अणभव घेतलो.<br>5. संथ आनी द्रुत लयीत लोकगीत गावन भुरग्यांक ताचेंर नृत्य करप. | गाणी, वाटी, पेलो, चमचो, डबो, वडी, घुमट, टाळ, खंजीर, लोकगीत. |
| बालवाटिका 2 | आवाजाची निर्मिती | वेगवेगळ्यो प्रकारचें ध्वनी | 2. आवाज, कुड वा साधनां हांचो वापर करून संदर्भ परिस्थितीनुसार वेगवेगळ्यो ध्वनी निर्माण करता. (भूमिका, अभिनय, एकल वा पंगडांत संगीतमय व्यवस्थीत रचना, नकलो) | 1. वेगवेगळ्या प्राण्यांची आनी पक्ष्यांची नक्कल करप, आवाज काडप.<br>2. गाणे म्हणतनां साथ दिवपा खातीर टाळयो वाजोवप.<br>3. पेनांचे टोपण, कागदाची सुरळी हें सारकें वस्तूंचेर फूंक मारून ध्वनी निर्माण करप.<br>4. ओठ आनी जीब हांचो वापर करून गाडयो, घोडागाडी, हॉर्न हांचो आवाज काडप. | पेनाचे टोपण, कागद |
| बालवाटिका 2 | आवाज | वर्गीकरण, तीव्रता, मृदुता | 3. आवाज, कुड, वस्तू हांचो वापर करतना वा साधना वांगडा खेळतना आवाजाची मात्रा, आवाजाची पट्टी हांचे बरोबर प्रयोग करता. | 1. आपले नांव दुसऱ्या भुरग्यांच्या कानात कुजबुज करून सांगप आनी मोठ्यान सांगप.<br>2. मृदु आवाजातली प्रार्थनेची वळ आनी तीव्र आवाजातली घोशणा हांचो अणभव दिवप.<br>3. झांज, ढोलक हें सारके वाद्यांचे मृदू आनी तीव्र आवाज आयकोवप.<br>4. मृदू आनी तीव्र आवाजात टाळयो वाजोवप. | प्रार्थना, घोशणां, झांज, ढोलक आनी हेर वाद्यां, मोबायल. |

| ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करता. आनी तांच्यो भावना अर्थ पुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेद्वारा व्यक्त करता.<br>क्षमता : C-12.3 कलेच्या माध्यमातल्यान स्वताच्यो कल्पना आनी भावना व्यक्त करपा खातीर सर्जनशीलता आनी कल्पकतेचो उपेंग करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | कला | सर्जनशीलता | 1. कलेबाबतीच्यो स्वताच्यो कल्पना, साधनां आनी पद्धतीन हेरांक सांगता आनी परिचीत देखीच्या मजतीन तांचे उत्सफूर्त सादरीकरण करता. | 1. संगीताच्यो धून वाजतना स्वताच्या कल्पनेन कृती आनी हालचाली करून नृत्य करप.<br>2. दिल्ल्या आकृतीत स्वताच्या कल्पनेन क्रेयॉन रंग भरप.<br>3. खोडवान मुक्त रेखाचित्र रंगोवप.<br>4. वस्तूचो वापर वेगळें रितीन करपाचो अभिनय करता. (देख- पेन्सिलेक ब्रश मानून दात घासपाचो अभिनय) | मोबायल, क्रेयॉन कागद, खोडू, पेन्सिल, हेंर वस्तू |
| बालवाटिका 2 | नाट्य | अभिनय | 2. दृक आनी ललित कलेच्या माध्यमातल्यान व्यक्ती, प्राणी, वनस्पती, वस्तू वळखपाक येवपा सारकें शारिरीक आनी वर्तन वैशिश्टांची नक्कल करता. | 1. वेगवेगळे व्यवसाय करपी व्यक्तीची चित्रफीत दाखोवन तांची नक्कल करपाक सांगप. (देख- दोतोर, ट्रॅफिक पोलीस, बस कंडक्टर, भाजी वालो)<br>2. काणयेंत वा नाट्यकृतीत प्राणी, वनस्पती, फळां, फुलां, वस्तू हांच्यो भूमिका करप. | चित्रफीत, काणी, नाट्य |

| ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करता. आनी तांच्यो भावना अर्थ पुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेद्वारा व्यक्त करता.<br>क्षमता : C-12.4 कलामाध्यमात सहयोगान काम करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | कला | सामूहीक निर्मिणी आनी सादरीकरण | 1. वांगडच्या मदतीन वेगवेगळी संभाशण, हालचाली, ध्वनी आनी कलेचे नमुने तयार करता. | 1. गटांत वा जोडीदाराच्या वांगडां काणयेतल्यो घडणूको/ दिसपट्टे, जीणेंतलो परिचयाचो प्रसंग सादर करप.<br>2. गटांत रांगोळी काडप, कोलाजकाम करप.<br>3. जोडीदारा बरोबर गाणी/ नृत्य सादर करप. | काणी, रांगोळी, कोलाजकामा खातीर लागपी वस्तू, ठसेकामा खातीर लागपी वस्तू, गाणे, नृत्य |

ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करता. आनी तांच्यो भावना अर्थ पुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेद्वारा व्यक्त करता.
क्षमता : C-12.5 वेगवेगळ्यो कला, स्थानीक संस्कृती आनी वारसो हांची निर्मिती करतना आनी अणभव घेतनां वेगवेगळ्या प्रकाराच्यो प्रतिक्रीयांक प्रतिसाद दिता, प्रशंसा करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | कला | आकलन संवाद | 1. कलाकृती वा स्थानीक सांस्कृतीक अभिव्यक्ती हांचो वेगवेगळ्या विशयाचेर संवाद सादता. | 1. एखादी चित्रफीत, नाटिका पळयतना पात्रांच्या ठळक वैशिश्टांबद्दल हेरांक सांगता.<br>2. परिसरातली ऐतिहासीक वा सांस्कृतीक थळां पळयतकच प्रतिक्रिया व्यक्त करता.<br>3. आवडिल्ले चित्र, शिल्प आनी हेर कलाकृती हांचे बद्दल हेरां कडेन उलोवप. | चित्रफीत, नाटिका, ऐतिहासीक आनी सांस्कृतीक थळां, चित्रां, शिल्पा आनी हेर कलाकृती |
| बालवाटिका 2 | कला निर्मिती | कल्पना, संवाद सादरीकरण | 2. कलेच्या प्रक्रिये वेळार वांगडच्या बरोबर प्रतिसाद आनी कल्पनेची देवाण-घेवाण करता. | 1. कागदाचे घडीकाम, ठसेकाम, कोलाज हें सारकें कलात्मक कृती एकठांय करतना आपल्यो आनी हेरांच्यो कल्पना हांची देवा-घेवाण करून तें संबंदी हेरां वांगडां भासाभास करपाची संदी दिवप.<br>2. हेरां वांगडां नाट्य, नृत्य, वेशभूशां सादरीकरणात सहभागी जावन सादरी करणा संबदांन चर्चा करप आनी कल्पनांची देवा-घेवाण करप. | घडीकाम, ठसेकाम, कोलाज कामा खातीर आवश्यक वस्तू, नाट्य, नृत्य, वेशभूशां सादरीकरण. |

विकास क्षेत्र : सकारात्मक अध्ययन सवयों.
ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. ते खातीर तांका वर्गासारख्या औपचारीक अध्ययन वातावरणात सक्रिय रावपाक येता.
क्षमता : C-13.1 अवधान आनी हेतुपुरस्पर कृती विशीश्ट ध्येय प्राप्ती खातीर नियोजन अवधान केंद्रीकरण मार्गदर्शीत कृती करप, अशी कौशल्या संपादीत करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | एकाग्रता | 1. जाणट्याच्या मदतीन प्रकटवाचन, कथाकथन हें सारकें कृतींत काय वेळा खातीर लक्ष विचलीत जाय नासतना एकाग्र जाता. | 1. आवाजातलो चढ-उतार आनी अभिनयासयत प्रभावी पद्धतीन काणयो सांगून एकाग्रतेन आयकपाची सवय लावप.<br>2. भुरग्यांनी एकाग्रतेन वाचनात सहभागी जावप हें खातीर योग्य जाग्यार उतारांचेर दिल्लो जोर आनी आवाजातलो चढ-उतारांचो वापर करून भुरग्यांक वाचनाचो आनंद दिवप.<br>3. भुरग्यांक आवडटल्यो अश्यो चित्रफीत, बावल्योनाट्य, नाटिका पळोवपाची संदी दिवप. | काणयो, चित्रफीत, बोलक्यो बावल्यो, नाटिका |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | एकाग्रता | 2. आवडटात त्यो वेगवेगळ्यो कृती करत रावता. नाट्यात्मक खेळ आनी ठोकळे दवरिल्या जाग्यार 10 मिनीटां खातीर खेळटा. | १. भुरग्यांक आवडट्या तें अध्ययन कोपऱ्यांत १० मिनीटां खातीर खेळपाची संदी दिवप. (देख- ठोकळ्यांची रचना, चित्रपुस्तकां, बावल्यो रंगकाम, ठसेकाम, मातीकाम) | ठोकळे, बावल्यो, चित्रपुस्तकां, रंग, माती, ठसेकामा खातीर जायत्यो वस्तू |

| ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. ते खातीर तांका वर्गासारख्या औपचारीक अध्ययन वातावरणात सक्रिय रावपाक येता.<br>क्षमता : C-13.2 स्मृती आनी मानसीक लवचिकता संरचित वातावरणात अध्ययन सोंपें जावपा खातीर योग्य कार्यकारी स्मृती, मानसीक लवचिकता, स्वयंनियंत्रण विकसीत करप. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | स्मृती | 1. स्वताक गरजेचे आसपी प्रसाधन साहित्य वा खेळणी हांची यादी म्हणून दाखयता. | 1. प्रसाधन साहित्याचेंर आदारीत बोलक्या बावल्याच्यो संवाद आयकोवप.<br>2. गजालीच्या माध्यमातल्यान भुरग्यांच्या त्यांच्या प्रसाधन साहित्याविशी उलोवपाची संदी दिवप.<br>3. खेळांविशीं चर्चा करतना भुरग्यांक खेळाखातीर आवश्यक साहित्य आनी विविध खेळपाची नांवा सांगप. | बोलक्यो बावल्यो |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | स्मृती | 2. स्मरणशक्तीचो खेळ आनी जोडयो लावप हे सारकें खेळ खेळटा. | 1. भुरग्यांक पयलें दिसा कितें केले, खंयची बरी घडणूक घडली, घरां भायर खंय गेलो, कितें केले हें विशीं उलोवप.<br>2. टेबलाचेंर काय वस्तू दवरून त्यो थोड्या वेळा खातीर दाखोवन कपड्यान धापून दवरप. मागीर भुरग्यांन पळयिल्ल्या चडान चड वस्तूची नांवा सांगपाचो यत्न करप.<br>3. एक सारकें रंग आनी आकाराच्या वस्तूच्यो जोडयो लावप. (देख- बॉल, बावली, पानां, फुलां आदी) | मेज, बॉल, वेगवेगळ्यो वस्तू, बाबली, पानां, फुलां |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | स्मृती, सूचना पाळप | 3. सोपी कामा करपा खातीर दोन टप्प्यांच्यो सुचवण्यो लक्षांत दवरता आनी पाळता. (देख- हात धूंवप, खावपाक करपाक मजत करप) | 1. भुरग्यांक कमीत कमी उतरान दोन टप्प्यांच्यो सुचोवण्यो दिवप. भुरग्यांक तें प्रमाण कृती करतकच तांचे कौतुक करून प्रोत्साहन दिवप. (देख- बॉल हाडप, टेबलाचेर दवरप, इश्टांक दिवप) | बॉल, फूल |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | स्मृती | 4. काणी आनी गाणी हातूंत कृती लक्षात दवरता. | 1. काणी आनी गाणी म्हणतना अर्थांक पूरक अभिनय आनी कृती भुरग्यांक करून दाखोवप.<br>2. भुरग्यांक काणी आनी गाणी म्हणतना अभिनय आनी कृती करप. | काणी आनी गाणी |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | प्रयत्न, समस्या निराकरण, कौशल्य वापरता | 5. एखादी काणी पयलें खेपो करपाक आयलीना जाल्यार जाणटे व्यक्तीच्या मदतीन दुसरो मार्ग स्वीकारून बोधात्मक लवचिकता दर्शयता. (देख– पयल्या प्रयत्नांन उचायेर चडप, शक्य न जालोना जाल्यार दुसरो मार्ग वापरप) | 1. ठोकळ्यांचो मनोरा रचपाक सांगप. मनोरो कोसळटा जाल्यार भुरग्यां कडेन चर्चा करून उपाय सोदप.<br>2. कपाटा सकयल अडकल्ली वस्तू, बॅटान वा बडयेन काडप.<br>3. दोरयेवेलो कपडो बडयेन वा खुर्चेर उबे रावन काडप.<br>4. आरमारीवेलो बॉल काडपा खातीर स्टूल, मेज वा खुर्ची हांचो वापर करप.<br>5. वस्तू घेवपा खातीर जाणटे व्यक्तीचें सहकार्य घेवप. | बॅट, बडी, कपडो, बॉल, आरमार, स्टूल, खुर्ची, टेबल |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | अवधानात जाय तेन्ना वदल करप | 6. गरजेंनुसार अवधान एका कामावेल्यान वा कृतीवेल्यान दुसरी कडेन वळोवपाची क्षमता दाखयता. | 1. एकाकडल्यान दुसरें कडेन अवधान वळोवपाची क्षमता निर्माण करपा खातीर भुरग्यांक योग्य पद्धतीन वेगवेगळें अध्ययन अणभव दिवप. देख– कागदाच्या घडीकामा उपरांत चित्र वाचन, काणयो, गाणी. | कागद, चित्रपुस्तक, काणी, गाणी |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | वर्तन समस्या आनी उपाय येवजण्यो | 7. वांगडच्यांचें वर्तन वा तांच्यो आंतरक्रियांखातीर त्रास जाता जाल्यार जाणटे लोकांची मजत घेता. | 1. वांगडच्यांचें उलोवप आनी वर्तन हाचें खातीर भुरग्यांक जावपी त्रास, जाणटे व्यक्तीच्या मजतीन कसो सोपता हें विशीं बोलक्या बावल्यांचे नाट्य सादर करप.<br>2. भुरग्यांकडेन व्यक्तीगत संभाशण करून तांच्यो समस्या जाणून घेवप.<br>3. वांगडच्यांचें भुरग्यांचे वर्तनाचो त्रास जावपी भुरग्यांनी जाणट्याची मजत घेवप ह्यो विचार समजून सांगपी घडणूको, प्रसंग, काणी सांगप. | बोलक्यो बावल्यो, काणयो |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | समस्या आनी उपाययोजना | 8. वांगड्या खातीर जावपी त्रास, काय उतरां, खुणो वा हावभावाच्या माध्यमातल्यान जाणटे मनशांचे मदतीन व्यक्त करप. | 1. वांगडच्या भुरग्यांचे वर्तना खातीर जावपी त्रास आनी ताचेर उपाय हें विशीं भुरग्यां कडेन भासाभास करप.<br>2. वांगडच्या भुरग्यांनी त्रास दिल्यार जाणट्याच्या मजतीन उतरां, खुणो आनी हावभावाच्या माध्यमातल्यान त्यो उक्तावच्यो, चावप, धूकलप, हें सारक्यो कृती करच्यो न्हय ह्यो विचार भुरग्यांक काणयेतल्यान समजावन सांगप. | काणयो |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | आवेगात्मक वर्तनाचेर नियंत्रण | 9. जाणटे व्यक्तींच्या मदतीन आवेगात्मक वर्तनाचे नियत्रंण करता. | 1. भुरग्यांक आवेगात्मक वर्तनाचे वेळार जाणीव करून दिता.<br>2. नियंत्रीत वर्तनाचेर आदारीत बोलक्यो बावल्यांचो संवाद सादर करता.<br>3. नियंत्रीत वर्तना विशीं भुरग्यां कडेन संभाशण करप. | बोलक्यो बावल्यो |

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. ते खातीर ताकां वर्गासारख्या औपचारीक अध्ययन वातावरणात सक्रिय रावपाक येता.
क्षमता : C-13.3 निरीक्षण, अजाप, उत्सूकता आनी सोद वस्तूंच्या सूक्ष्म बारकाव्यांचे निरीक्षण करता, वेगवेगळ्यो ज्ञानेंद्रियांचो वापर करून सोद घेता आनी अजाप उक्तायता, वस्तू हाताळटा आनी प्रस्न विचारता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | उत्सूकता | 1. सैमीक वातावरणांत उत्सूकता आनी अजाप दाखयता. | 1. भुरग्यांक सैम भोंवडी व्हरून मुक्तपणान फिरपाची आनी खेळपाची संदी दिवप.<br>2. सैम भोंवडी करतना भुरग्यांकडेन सैमांतली वेगवेगळी झाडां, प्राणी, पक्षी, पाखे, मळब, कुपां हें विशीं गजाली करप.<br>3. बागेतली फुलां, पानां, फातर, पिसां ह्यो वस्तू जमोवपाक सांगप.<br>4. भुरग्यांच्या मनांत सैमाविशीं उत्सूकता आनी अजाप निर्माण करपी चित्रफीत दाखोवप. | झाडां, प्राणी, पक्षी, पाखो, मळब, कुपां, पानां, फुलां, चित्रफीत |
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | सोदवृत्ती, उत्सूकता | 2. जाणटे व्यक्तींच्या मदतीन वा मदती बगर सरभवतणच्या परिसराचो सोद घेवपा खातीर उत्सूकता दाखयता. | 1. सवण्यांचें घरटे दाखोवन ताची म्हायती दिवप.<br>2. फुलपाख्यांचे निरीक्षण करप.<br>3. सवण्यांचें आवाज आयकप.<br>4. इतिहासीक आनी सांस्कृतीक थळांक भेट दिवप.<br>5. दुर्बिणीन पयसूल्यों वस्तू पळोवप. | घरटे, फुलपाखो, पक्षी, इतिहासीक आनी सांस्कृतीक सुवाती, दुर्बिण |

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. ते खातीर तांका वर्गासारख्या औपचारीक अध्ययन वातावरणात सक्रिय रावपाक येता.
क्षमता : C-13.4 वर्गखोलीचें नियम समजपूर्वक स्वीकारता आनी पालन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 2 | सकारात्मक सवयो | नियमपालन | 1. शिक्षकांन दिल्ल्या सुचोवण्यो नुसार वर्गातलें नियम पाळटा. | 1. चप्पल/बूट योग्य जागेंर दवरप.<br>2. मैदानार वा सभागृहात रांगेन वचप.<br>3. अध्ययन कोपऱ्यात वापरिल्लें साहित्य योग्य जाग्यार दवरप.<br>4. क्रियाकलाप करतना पडिल्लो कोयर उखलून कोयरा पेटयेंत वडोवप. | कोयरा पेटी |

राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद, पर्वरी–गोवा